# कोंकणी नाटकांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी

# ( Konkani Natkatlya Vakprachaar, Mhani Aani Venchik Utranchi Arthavani )

A Dissertation for

Course code and Course Title: KON-650 Dissertation

Credits: 16

Submitted in partial fulfilment of Masters Degree

MA in Konkani

by


**Ms. Sanjana Bapu Shetkar**

Seat Number: 22P0180026

ABC ID:772410309641

PRN: 201903959


Under the Supervision of


**Dr. (Ms.) Ramā Murkunde**

Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Discipline of Konkani


**Goa University**

**April 2024**

Examined by: Seal of the School

# DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation report entitled, 'कोंकणी नाटकांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी' is based on the results of investigations carried out by me in the Discipline of konkani at Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University under the Supervision of Dr. (Ms.) Ramā Murkunde and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities/College will be not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University/college authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

SShetkar

Ms. Sanjana Bapu Shetkar

Seat no:22P0180026

Date: 16 – 04 - 2024

Place: Goa University

# COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation report **'कोंकणी नाटकांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी'** is a bonafide work carried out by **Ms. Sanjana Bapu Shetkar** under my supervision in partial fulfilment of the requirements for the award of the degree of **Master Of Arts** in the **Discipline of konkani** at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University.

Dr. (Ms.) Ramā Murkunde

Discipline of Konkani

Date :16 - 04 - 2024

GOA UNIVERSITY SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE TALEIGAON PLATEAU

Prof. Anuradha Wagle

School stamp

Dean, Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Date : 16-04-2024

Place: Goa University

# प्रस्तावना

‘कोंकणी नाटकांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी’. हया विश्याचेर हो कोंकणी भाशेंतलो पयलो वयलो वावर जावन आसा.

प्रस्तूत सोद वावरांत स प्रकरणांनी विभागला. पयल्या प्रकरणांत : विशयाची प्रस्तावना, हेतू, आवाठ, मर्यादा, संशोधन पद्दती तशेंच प्रकरणांची मांडणी नमूद केल्या. दुसऱ्या प्रकरणांत : नाटकाची व्याख्या, घटक आनी इतिहास दिला. तशेंच तिसऱ्या, चवथ्या आनी पांचव्या प्रकरणांत, वेचींक उतरां, वाक्प्रचार आनी म्हणींची व्याख्या आनी तांचे संकलन, अर्थावणी करून देखी दिल्यात. जाल्यार सव्या प्रकरणांत : पुराय अभ्यासाचो समारोप आनी निश्कर्श रितसर मांडला.

हे प्रबंधिकेतल्यान वाक्प्रचारांचो सरळ आनी आड अर्थ समजतलो, कांय उतरां शब्दकोशांत वा कोशांनी मेळनात तांचे अर्थ देखी सयत मेळटले. तशेंच मोट्या प्रमाणांत नाटकांतले वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवीं उतरां उपलब्द जातली.

# उपकार

म्हज्या जिवितांतलो आनीक एक पांवडो हुंपपाची म्हाका संद दिल्लें खातीर हांव सगळयांत पयलीं गोंय विद्यापीठाचें उपकार मानतां. गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू, सि. प्रो. हरिलाल मॅनन तशेंच कुलसचीव, सि. प्रो. व्ही. एस. नाडकर्णी हांकां हांव काळजा सावन देव बरें करूं म्हणटां.

गोंय विद्यापीठाचे शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशालेची अधिश्ठाती, प्रो. अनुराधा वागळे, उप-अधिश्ठाती, प्रो. वृशाली मांद्रेकर आनी उप-अधिश्ठाते डॉ. प्रकाश पर्येकार हांणी दिल्ल्या प्रोत्साहना खातीर तांकां नमळायेन दिनवासतां. सतत योग्य सल्ले दिवन उर्बा वाडोवपी महाशालेचे कोंकणी अध्ययन शाखेचे संचालक डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांचे प्रती हांव खूब कृतज्ञताय व्यक्त करतां.

प्रस्तूत प्रबंध बरयताना म्हजें योग्य रितीन मार्गदर्शन केल्लें खातीर आनी म्हाका आयिल्ल्यो सगळयो अडचणीं समजून घेतिल्ले खातीर हांव म्हजी मार्गदर्शक, स. प्रा डॉ. रमा मुरकुंडे हांचे खूब प्रामाणीकपणान उपकारी आसा. तांणी म्हज्या ह्या सोद वावराक सुचोवण्यो करून जायती मदत केली. जेन्ना जेन्ना हांव आडखलें, तांणी म्हाका घुस्पल्लें तेन्ना तेन्ना योग्य वाट दाखयल्या. ते खातीर हांव तांचे मना काळजा सावन उपकार मानतां. तांचे सल्ले घेवन हांवें हो सोद वावर मुखार व्हेला.

गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी विभागांतल्या हेर शिक्षकांनी म्हाका वेळ आनी मार्गदर्शन दिल्ले खातीर हांव तांचेय उपकार मानतां. ह्या सोद वावरा खातीर संदर्भ पुस्तकां गोंय विद्यापीठ वाचनालय ताळगांव, कृष्णादास शामा वाचनालय, पणजी, गोवा कोंकणी अकादेमी, पाटो - पणजी ह्या वाचनालयांचो म्हाका आदार जालो. थंयचा अधिकाऱ्यांनी म्हाका फावो ती मदत केली ते खातीर हांव तांचे उपकार मानतां.

म्हाका सदांच साथ दिवपी म्हळयारूच म्हजी आवय बापूय श्रीमती आनी श्री. लक्ष्मी बापू शेटकार हांचे हांव सदांच उपकारीं. हो सोद वावर करताना म्हाका आदार करप्यांक वैभव, मायोला, तृप्ती, वॅनीशा आनी हेर इश्टांक हांव दिनवासतां. अखेरेक प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रुपानं म्हाका जांची जांची मदत जाली तांचे हांव उपकार मानतां.

शेवटाक, म्हजे कडल्यान हो अभ्यास करून घेतिल्ले खातीर हांव सर्वव्यापी परमेश्वरा मुखार आनी म्हजे अंतस्करणांतले सदसदविवेकबुद्दी मुखार नतमस्तक जाता.

कु. संजना शेटकार

थळ : गोंय विद्यापीठ

# तकटे


| तकटे क्र. | माथाळो | पान क्र. |
|---|---|---|
| 3.1 | कोंकणी नाटककार, नाटकां आनी टक्केवारी | 23 |
| 3.2 | कोंकणी नाटककार, नाटकां आनी दशकां प्रमाण तांची केल्ली विभागणी | 24-25 |
| 6.1 | नाटकांनी आयिल्ले वाक्प्रचार | 73 |
| 6.2 | आंगांच्या अवयवाचेर आदारून आशिल्लें वाक्प्रचार | 74 |
| 6.3 | नाटकांनी चड प्रमाणांत वापरिल्ले वाक्प्रचार | 76 |
| 6. 4 | नाटकांनी आयिल्ल्यो म्हणी | 78 |

# सारांश

वाक्प्रचार आनी म्हणी लोकवेदाचो एक म्हत्वाचो वांटो जावन आसा. पयलींच्या काळार लोक वाक्प्रचार आनी म्हणींचो वापर खूब करताले पूण आतां तो वापर खूब उणो जायत आसा.

साहित्यांत आमकां वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरां खूब मेळटात पूण कोंकाणी नाटकांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरां कितले प्रमणांत आयल्यात, खंयच्च्या नाट्ककारान कितल्या प्रमाणांत तांचो वापर केला हाचो अभ्यास आजून मेरेन तसो केल्लो ना. देखून प्रस्तूत सोद वावरा वरवीं तो करपाचो प्रयत्न केला.

ह्या सोदवावरा खातीर वेंचीक नाटककारांची निवड केल्या. कोंकणींतल्या प्रकाशीत नाटकांची रीतसर वळेरी केल्या, वाक्प्रचार आनी म्हणी हांची व्याख्या आनी अर्थ सोदून काडलो, नाटकांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवी उतरांची वळेरी करून अर्थावणी केल्या आनी देखी दिल्यात. नाटकांचें वाचन करून वाक्प्रचार, म्हणी आनी नव्या उतरांचें वर्गीकरण केलां.

प्रस्तूत प्रबंधिकेंतल्यान विद्यार्थ्यांक वाक्प्रचाराचो अर्थ वळखुपाक आनी समजूक मेळटलो, वाक्प्रचारांचें दस्तावेजीकरण जातले, तशेंच वाक्प्रचारांचो सरळ आनी आड अर्थ समजतलो, कोंकणी नाटकांनी वाक्प्रचार आनी म्हणींचो वापर कसो केला ताचो सोद जातलो. तशेंच खंयचो नाटकार आपल्या नाटकांनी कितल्या प्रमाणांत वाक्प्रचार वा म्हणींचो वापर करता तें कळटलें.

**विशय केंद्रीत उतरां :** कोंकणी नाटक, कोंकणी वाक्प्रचार, कोंकणी म्हणी, अर्थावणी, संकलन.

**मांडावळ**


| प्रकरण | माथाळो | पान क्र. |
|---|---|---|
| | प्रस्तावना | i |
| | उपकार | ii-iii |
| | तकटे | iv |
| | सारांश | v |
| 1. | **विशय प्रवेश** | **1 - 8** |
| | 1.1 प्रस्तावना | |
| | 1.2 संशोधनाची समस्या | |
| | 1.3 अभ्यासाचीं उद्दिश्टां | |
| | 1.4 अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा | |
| | 1.5 साहित्य नियाळ | |

1.6 सोद वावराची पद्दत

1.7 प्रबंधिकेची उपयुक्तताय

1.8 प्रकरणांची मांडावळ

2. **नाटक-व्याख्या, घटक आनी इतिहास** **09 - 21**

2.1 नाटकाची व्याख्या

2.2 नाटकाचे घटक

2.3 नाटकाचो इतिहास

2.3.1 कोंकणी नाटकाचो इतिहास

3. **वाक्प्रचार -व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी** **22 - 53**

3.1 वाक्प्रचार- व्याख्या

3.2 वाक्प्रचाराचें संकलन -अर्थावणी आनी देखी

4 . **म्हणी – व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी** **54 - 64**

4.1 म्हणी- व्याख्या

4.2 म्हणींचें संकलन- अर्थावणी आनी देखी

5. **वेंचीक उतरां : संकलन,अर्थावणी आनी देखी** **65 - 68**

6. **समारोप आनी निश्कर्श** **69 - 81**

**संदर्भ** **82 - 92**

# पयलें प्रकरण : विशय प्रवेश

## 1.1 प्रस्तावना :

संवसारांत लोकवेदाची सुरवात खूब पयलीं जाल्ली आनी तांतूत म्हणी आनी वाक्प्रचार हो लोकवेदाचो एक म्हत्वाचो वांटो जावन आसा. सुरवातेच्या काळार वाक्प्रचार आनी म्हणी मौखीक स्वरुपान घोळटाल्यो. उपरांत ही म्हायती आमकां लिखीत स्वरूपान मेळपाक लागली. कोंकणी भास ही म्हणी आनी वाक्प्रचार भरिल्ली खाण जावन आसा. जितली तीं आमी उस्तितात तितलीं हे भाशेंतली रत्नां आमच्या हाताक लागतात आनी लागतलीं.

इंक्विजीशनाच्या काळांत म्हणींचें संकलन, अर्थावणी करपाचो वावर थंडावलो आनी तो बद्द २०व्या शेंकड्याच्या सुरवातेक सुरू जालो. वाक्प्रचार आनी म्हणींचें हें जें संकलन जाल्लें आसा तें आदलें. आतांचें संकलन खूब उणें आसा. ताका लागून कोंकणींतल्या देवनागरी लिपयेंतल्या नाटकांनी कितले वाक्प्रचार आनी म्हणी आसात हांचो सोद घेवन ताची अर्थावणी करपाचो ल्हानसो प्रयत्न हांगा करतां. म्हणी आनी वाक्प्रचारांचो उपेग आयच्या युवा पिळगे कडेन खूब कमी प्रमाणात आयकपाक मेळना.

ताका लागून जर वाक्प्रचार आनी म्हणींचेर पुस्तक आयलें जाल्यार युवा पिळगेक आनी चड करून विद्यार्थ्यांक आदार जातलो म्हण हया विशयाचेर संशोधन करपाक हात घाला.

**1.2 अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा :**

1. कोंकणी साहित्य प्रकारांचो आवाठ व्हड आशिल्ल्यान सगळें साहित्य प्रकार घेवूंक ना.
2. कोंकणी साहित्य प्रकारांत फक्त नाटक ह्या साहित्य प्रकाराची निवड केल्या.
3. कोंकणींतल्या देवनागरी लिपयेंतलीं नाटकां घेतल्यात आनी गोंयांत प्रकाशीत जाल्लींच नाटकां वेंचल्यात.
4. अणकारीत आनी रुपांतरीत नाटकां घेवूंक ना.

**1.3 संशोधनाची समस्या :**

कोंकणी नाटकांनी वाक्प्रचार आनी म्हणी खूब मेळटा. पूण हाचे पयलीं ताचेर तसो अभ्यास जाल्लो ना. कोंकणी नाटकांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांचे संकलन जाल्लें ना. कोंकणी नाटकांतल्या वाक्प्रचार आनी म्हणींची तशी अर्थावणी देखी सयत दिल्ली ना. कोंकणी नाटकांतल्या नव्या उतरांचो सोद घेवपाक सोदतां.

## 1.4 प्रबंधिकेची उपयुक्तताय :

1. कोंकणीं नाटकांतले वाक्प्रचार,म्हणी आनी नवीं उतरां सोदून काडपाचो हो पयलो वावर आसा.
2. कोंकणींत वाक्प्रचाराचें स्वतंत्र अशें पुस्तक आजून मेरेन प्रकाशीत जाल्लें मेळना तर हो वावर कोंकणीतलो पयलो वयलो थारतलो.
3. कोंकणी नाटकांतलो वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवीं उतरां वाचून अभ्यासांत भर पडटली.
4. भाशेंत आशिल्ल्या विवीध वाक्प्रचारांची वळख घडटली आनी अर्थूय समजतलो. हाचो फायदो लेखक, विद्यार्थी, संशोधक आनी अणकारपी हांकां आदार जावूं येता, आदार जावूं येता.
5. वाक्प्रचाराचें गिन्यान विद्यार्थ्यांक बरो वक्तो आनी लेखक जावपाक मदत करतलें.
6. फुडाराक जर वाक्प्रचार वा म्हणीचेर खोलायेन अभ्यास करपाक सोदपी संशोधकाक हातूंतल्यान आदार मेळपाक शकता.
7. Language corpora तयार करप: कम्प्युटर अध्ययन शाखेंतल्या संशोधकाक असो कोरपस घेवन नवें ॲप्स आनी प्रोग्राम्स तयार करपाक भोव मोलाची मदत जातली.

## 1.5 अभ्यासाचीं उद्दिश्टां :

1. विद्यार्थ्यांक वाक्प्रचाराचो अर्थ वळखुपाक आनी समजूक मेळटलो.
2. वाक्प्रचारांचें दस्तावेजीकरण जातलें.
3. तशेंच वाक्प्रचारांचो सरळ आनी आड अर्थ समजतलो.
4. कोंकणी नाटकांनी वाक्प्रचार आनी म्हणींचो वापर कसो केला ताचो सोद जातलो.
5. तशेंच खंयचो नाटकार आपल्या नाटकांनी कितल्या प्रमाणांत वाक्प्रचार वा म्हणींचो वापर करता ते कळून येतले.

## 1.6 साहित्य नियाळ :

1. मोसिन्योर सेबास्तियाव रुदोल्फ दालगाद हे एक भाषापंडीत, शब्दकोशकार. कोंकणी म्हणीच्या संकलनाचो वावर सगळ्यांत पयली हांणी हातांत घेतलो. 1922 वर्सा लिजबोवाक छापिल्ले ‘Florilegio dos proverbios cancanis’ ह्या नांवाचें पुर्तुगेज भाशेंतल्यान पुस्तक छापिल्लें. हातूंत 2177 कोंकणी म्हणी रोमी लिपयेंत पुर्तुगेज अर्था सयत छापल्यात.

2. दुमीगुश जुआंव मेदिश हांणी ‘पुर्विल्ल्यो म्हणी’ ह्या नांवांन पुस्तक 1904 वर्सा मुंबयक उजवाडायलें. फादर लुवीस जुआव सौजान एक सुपुल्लें पुस्तक मंगळुराक उजवाडायलें. तांतूत 4 म्हणी संग्रह आसात.
3. 1942 वर्सा केल्ल्या ‘येवकार अध्यक्षालें उलोवप’ह्या आपल्या भाशणांत शणै गोंयबाबानी पाद्री सौज तशेंच मोसिन्योर दाल्गादान हांच्या म्हणी वयल्या वावराचो मुजरत उल्लेख केला.
4. 1953-1954 मेरेन ‘सोद’ ह्या नेमाळ्याचे चार अंक कोंकणी भाशा मंडळ, मुंबय हें संस्थेन उजवाडायले. ‘सोद’च्या दुसऱ्या, तिसऱ्या आनी चवथ्या अंकात ‘गौमन्तो पै’ न पुंजायल्या ‘तोंडांतलीं माणकां’ ह्या पुस्तकांत 3000 म्हणी दिल्यात.
5. 1985 वर्सा म्हणीचे दोन संग्रह उजवाडा आयले. पयलो पाद्री आन्तोनियो पेरेरा, एस. जे. हांचो ‘कोंकणी ओपारींचे भांडार’ आनी दुसरो आर. एस.प्रभु हांचे ‘कोंकणी म्हण्यां सोरु’.
6. कमालादेवी राव देशपांडे हांणी ‘म्हणी आनी ताच्यो फाटल्यो काणयो’ आयताराच्या सुनापरातांत उजवाडायल्यो आनी उपरांत त्यो पुस्तक रूपात छापून हाडल्यो. 1998 वर्सा तिचे म्हणीचे संग्रह दोन खंडांनी उजवाडाक आयले. ‘म्हणी फाटली काणी’ (खंड 1, खंड-2).

7. मनोहर पै घुंगट हांणी 'कोंकणी म्हणी सागर' ह्या नांवांन सुमार 1500 वयर म्हणींचो संग्रह तयार केलो. हें पुस्तक 2003 वर्सा उजवाडाक आयलें. ब्रेझिनो सुवारीस कालापुरकार हांणी 2007 वर्सा रोमी लिपयेंतल्यान 'Konkani oparincho jhelo' ह्या नांवांन म्हणींचो संग्रह उजवडायलो.

## 1.7 सोद वावराची पद्दत :

1. कोंकणींतल्या प्रकाशीत नाटकांची रीतसर वळेरी करप.
2. वाक्प्रचार आनी म्हणी हांची व्याख्या आनी अर्थ सोदून काडप.
3. नाटकांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवी उतरांची वळेरी करून ताची अर्थावणी करप आनी देखी दिवप.
4. नाटकांचें वाचन करून वाक्प्रचार, म्हणी आनी नव्या उतरांचे वर्गीकरण करप.

## 1. 8 प्रकरणांची मांडावळ

1. विशय प्रवेश

1.1 प्रस्तावना

1. 2 संशोधनाची समस्या

1. 3 अभ्यासाचीं उद्दिश्टां

1. 4 अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा

1. 5 साहित्य नियाळ

1. 6 सोद वावराची पद्दत

1. 7 प्रबंधिकेची उपयुक्तताय

1. 8 प्रकरणांची मांडावळ

2 . नाटक-व्याख्या, घटक आनी इतिहास

2.1 नाटकाची व्याख्या

2.2 नाटकाचे घटक

2.3 नाटकाचो इतिहास

2.3.1 कोंकणी नाटकाचो इतिहास

3. वाक्प्रचार -व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी

3.1 वाक्प्रचार- व्याख्या

3.2 वाक्प्रचाराचें संकलन -अर्थावणी आनी देखी

4. म्हणी- व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी

4.1 म्हणी - व्याख्या

4.2 म्हणींचें संकलन- अर्थावणी आनी देखी

5. वेंचीक उतरां : संकलन,अर्थावणी आनी देखी

6. समारोप आनी निश्कर्श

संदर्भ

# दुसरें प्रकरण : नाटक-व्याख्या, घटक आनी इतिहास

## 2.1 नाटकाची व्याख्या

1. भरतमुनिंच्या नाटयशास्त्रांत सांगिल्ले नाटकाचे उत्पत्ते प्रमाण संवाद, अभिनय, संगीत आनी रस हे नाटकाचे चार घटक आसात. नाटक हाचो मूळ अर्थ अभिनय करप असो आसा. ‘नट’ हें संस्कृत उतर मुळांत प्राकृतांतल्यान आयलां. मूळ उत्तर ‘नर्त’ म्हळ्यार नाचपी. नट म्हणजे अभिनय करपी, सवंग करपी आनी नाटक म्हळ्यार नाटकाच्या रूपान, सवंगाच्या रूपान दाखोवपी असो अर्थ रूढ जालो. इंग्लीशींतलें ‘ड्रामा’ हें उत्तर मूळ ग्रीक उत्तर ‘ड्रन’ हाचें वयल्यानूच आयलां. ताचो अर्थ ‘टू डू’ वा कृती करप असो जाता.

2. “नाट्यकला म्हळ्यार सृजनात्मक अभिव्यक्तिचें एक रूप . जंय मुखेलपणान संवादमूलक आलेख वा कथा नाट्याच्या मार्फत बाकिच्या रंगशिल्पींच्या आदारान खंयच्याय माचयेर वा नाटकघरांत प्रेक्षकांच्या मुखार सादर जाता” अशें श्रीधर कामत बांबोळकार ‘नाटकः उगम आनी विकास’ ह्या लेखांत मांडटात. (बांबोळकार,09 )

3. सीसरो (Sisro) “Drama is a copy of life, mirror of custom, a reflection of truth” अशी नाटकाची व्याख्या दिता.

(https://www.wisdomlib.org/hinduism/book/thenatyashastra/d/doc202316.html)

(स्वैर अणकार : नाटक ही जिविताची प्रत, रित्तिरीवाजाचो हारसो आनी सत्याचें प्रतिबिंब आसा.)

4. कॉलरिजाच्या (coleridge) मता प्रमाण "The drama is a copy but an imitation of nature" अशी नाटकाची व्याख्या दिता. (Fogle,44 )

(स्वैर अणकार: नाटक हें एक अनुकरण, वास्तवाची प्रत न्हय.)

5. भालचंद्र गांवकार हांच्या मता प्रमाण "नाटक म्हळ्यारूच जिवीताचें पडबिंब दाखोवपी हारसो"अशी नाटकाची व्याख्या दिता. ( गांवकार,37 )

6. पुंडलीक नायक 'रंगपाट' पुस्तकांत म्हणटा "नाटक म्हळ्यार कथानक पात्रां, अभिनय आनी सादरीकरणाच्यो चार गजालींच्या चौकोनांत तयार केल्ली साहित्य कृती" अशी नाटकाची व्याख्या दिता.( नायक, Pg no : 11 )

## 2.2 नाटकाचे घटक

नाटक बरें जातलें जाल्यार हेर साहित्य प्रकारान जशे घटक आसतात तशेच घटक नाटकांतूय आसतात. साहित्याचे नदरेंतल्यान कथानक, संवाद, पांत्रां, भाशाशैली, आवाजा-उजवाडा येवजण, प्रेक्षक, आदी हे नाटकाचे मुखेल घटक आसात .

**कथानक**

कथानक हो नाटकाचो मुखेल घटक जावन आसा. दर एका नाटकांत ताच्या विशया प्रमाण ताची खाशेली अशी एक काणी आसता. ही काणी म्हळ्यारूच नाटकाचें कथानक. कथानक हें नाटकाचेर नियंत्रण दवरपी एक मुखेल सूत्र जावन आसा. नाटकाची सुरवात आनी शेवट एकामेंका कडेन जोडपाचें काम कथानक करता. नाटकांतलें विशय खुबदां समाजीक जीण, घरांतलें प्रस्न, मनशाचे मानसीकतायेचेर आदारून आसतात आनी ह्या सगळ्यां विशयांत पळोवप्याक संघर्श मेळटा. हो संघर्श वा हे प्रस्न सोडवपाचे नदरेन घडणुकांची रचणूक केल्ली आसता. नाटकांतलो हो संघर्श वा हें प्रस्न सोडोवप कथानकाचो मुखेल हेत आसता.

**संवाद**

'संवाद हो नाटकाचो आत्मो' अशें जायत्या विद्वानांचें मता आसा. जें कथानक नाटककार मांडटा ते संवादाच्या माध्यमांतल्यान मुखार वता. संवादांक लागून कथानकाची गती कायम उरता. संवादांतल्यान नाट्यात्मक आशय प्रगट जावपाक जाय. संवादाच्या प्रस्तुतीकरणान नाटकाक बळ येता. लेखकान जे तरेन संवाद मांडला ते तरेन उलोवप म्हत्वाचें नाजाल्यार संवादाचो गोडवो वता. तशेंच संवाद जाय थंयच आनी जाय ते तरेन जावप महत्वाचो. 'संवादातल्यान पुराय नाटक अभिप्रेत जाता' अशें भालचंद्र गांवकार 'साहित्य एक भासाभास' ह्या पुस्तकांत सांगतात. आधुनीक नाटकांनी परतून एकदां संगीत नाटकां सारखे गितांचो वापर करून संवाद सादपाचें तंत्र येवंक लागलां. जितले नाटकांत संवाद बरें आसतात तितलेच नाटक प्रेक्षकांक बरे तरेन पचता आनी रुचता.

**पात्रां**

पात्रां शिवाय नाटक पुराय जायना. पात्रां पुराय नाटक मुखार व्हरतात. कथानक फुडें व्हरपाक पात्रांचो मोलादीक वांटो आसता. पात्रांक पुराय नाटकांक जिते दवरता. पात्रचित्रण बरें जालें जाल्यार तें नाटक पळोवप्याच्या मनाचेर परिणाम घालता. हीं पात्रां वायट, बरी, मायेस्त, झगडाळू आसूं येतात. पूण ताच्यांनी भुमिका बरे तरेन निभयली जाल्यार तें नाटक रंगता. पात्रां रंगोवपी पार्तींचो व्यक्तिगत स्वभाव नाटकांत येवंक जायना.

## भाशाशैली

भाशाशैली हो नाटकाचो खाशेलो घटक जावन आसा. ज्या आदारान लेखकान शब्दांचो अर्थ वापरला, जय म्हणी वा वाक्प्रचार, पोरणी उतरावळी वापरल्या ती भाशाशैली. हे भाशाशैलेंत एके तरेची लय आनी गती आसची पडटा. ही लय संवाद, विरोध आनी समतोल ह्या तीन घटकांचेर आसता. जितले बरे तरेन भाशाशैली मांडटात तितलो नाटकाचो आशय पळोवप्यां मेरेन बरें कलात्मक पद्दतीन पावता. प्रेक्षक हो सर्वसामान्य व्यक्ती आनी ताचे मेरेन कथानक विशय पावपा खातीर ताचेच सदचे भाशेंत येवप गरजेचें आसता. हे मतींत दवरून लेखकान नाटकांची वा नाटकांत भास थरोवप गरजेची आसता.

## प्रेक्षक

प्रेक्षक हो नाटकाचो मुखेल घटक जावन आसा. प्रेक्षकाक नदरे मुखार दवरुन नाटक रचचें पडटा आनी तेन्नाच तें नाटक यशस्वी जाता. नाटकाचें यश आनी अपयश प्रेक्षकांचे प्रतिक्रियेचेर आदारून आसता. प्रेक्षकांक जें आवडटा तेंच नाटककारक दिवचें पडटा.

‘प्रेक्षकांची आवड आनी सगळ्यां घटकांचो आदार घेवन जर नाटककारान नाटक बरे तरेन रचलें पूण हें नाटक जर प्रेक्षकांक आवडूंक ना जाल्यार ह्या नाटकाक कांयच अर्थ ना अशेंय जाता’अशें मत भालचंद्र गांवकार आपल्या ‘साहित्य एक भासाभास’ ह्या पुस्तकांत मांडटात. (गांवकार,44 )

## 2.3 नाटकाचो इतिहास

नाटक हो एक दृक आनी श्राव्य असो साहित्य प्रकार जावन आसा. नाटकांतलें नेपथ्य, न्हेसपा येवजण, उजवाडा येवजण, कलाकाराचो अभिनय, हावभाव हीं नाटकाचीं दृश्य आंगां जाल्यार संवाद, संगीत, आवाजा येवजण हीं श्राव्य आंगां.

‘नर्त’ ह्या उत्तराचो अपभ्रंश नट ह्या उतरा वयल्यान नर्त म्हळयार नाचपी वा अभिनय करपी असो आसा. ह्या उतरा वयल्यान नाटक म्हळयार नटाची अनुकरणात्मक दृकश्राव्य अशी दिसता. ‘संवसाराच्या भावभावनांचे अनुकरणात्मक प्रकटीकरण म्हळयार नाट्य’ अशें मत भरतमुनी आनी कालीदास आदल्या आचार्यांनी मांडला.

भरतमुनीन नाटकाक ‘पंचमवेद’ म्हणला. ऋग्वेदांतल्यान पाठ्य, यजुर्वेदांतल्यान अभिनय, सामवेदांतल्यान गीत आनी अथर्ववेदांतल्यान विविध रस अशे घेवन ब्रह्मदेवान नाट्यवेद निर्माण केलो अशी कथा भरतमुनीच्या नाट्यशास्त्रांत आसा. हे उत्पत्ती प्रमाण

संवाद, अभिनय, संगीत आनी रस हे नाटकाचे चार घटक आसात. ‘लोकांच्या भावभावनांचें अनुकीर्तन आनी भावानुकीर्तन’. अशे भरतमुनी हेंच नाटकाचें प्रयोजन दिता.

चडश्या विद्वानांच्या मता प्रमाण  नाटकाचो उगम धर्मीक संदर्भात जाला हें वास्तवाक धरून आसलें तरी फक्त धर्मीक कृत्य असो शिमीत संदर्भ आयज नाटकाक लावन उपकारचो ना. लोकजिविताची सभावीक प्रवृत्ती आनी अभिव्यक्ती हो मानवाचो स्वभावीक गूण हांतुतूय नाटकाच्या निर्मितीचीं बिजां मेळटात. धर्मीक आंगां  आनी स्वभावीक प्रवृत्ती ह्या दोनय घटकांचो नाटकाच्या उगमा कडेन संबंद येता अशें आसलें तरी नाटकाच्या उगमा कडेन उत्सवाचें आंग आसल्या कारणान नाटकाची सुवात ही पूर्वपरंपरेन देवस्थानांनी तशेंच धार्मी मांडा कडेन आसली.

ग्रीक, रोमी, भारती धरून आद्य नाटकाचें स्वरूप हें चडशें लोकनाट्यात्मक  आनी सांप्रदायीक अशें उरलां. भारतीय नाटकाच्या उगमाचो संबंद वैदीक वाङमयाकडेन लावप जाता. वाल्मिकी रामायणांत आनी महाभारतांत नाटकाचो उल्लेख आसा.

**कांय संस्कृत प्राचीन नाटककार :** भरतमुनी हो भारतीय नाट्य शास्त्राचो प्राण. ताणें नाट्यशास्त्रावयलो प्रमाण असो ग्रंथ बरयलो. ताच्या बरपांत ताचे पयलीच्या

'अमृतमंथन' आनी 'त्रिपुरदाह' हीं दोन नाटकां मेळटात. पाणिनीन 'नटसूत्र' ह्या नाट्यशास्त्रा वयल्या ग्रंथाचो उल्लेख केला. पतंजलीन 'कंसवध' ह्या नाटकाचो उल्लेख केला. 'स्वप्नवासवदत्ता' आनी 'प्रतिज्ञयौगंधरायण', 'चारुदत्त', 'अविमारक', 'अभिषेक', 'प्रतिमा', 'दूतवाक्य', 'दूतघटोत्कच', 'उरूभंग', 'कर्णभार' हीं भासाचीं नाटकांरज आनी तम ह्या गुणांचे अर्थपूर्ण प्रकटीकरण रंगयतात.

महाकवी कालीदासान प्रभावी नाट्यबंध आनी काव्यात्मक शैलीन 'मालविकाग्निमित्र', 'विक्रमोर्वशीय' आनी 'अभिज्ञानशाकुंतल' अशीं नाटकां बरयलीं.

**प्राचीन ग्रीक आनी रोमन नाटककार** : धर्मीक उत्सवाच्या निमतान तयार जाल्या ग्रीक नाटकांनी आपल्या तालार संवसाराक नाचोवपी नियती आनी तिचे वरवीं जावपी शोकांतिका हांकां बरेंच म्हत्व दिल्लें दिश्टी पडटा. शोकांतिके वांगडाच सुखात्मिका, विडंबन नाट्य हे नाटकाचे प्रकार उण्या प्रमाणांत आसले. एरिकलस-पैसे प्रोमेथेऊस बाउंड(Eryclus (Prometheus Bound), सॉफोक्लीझ-ईडिपस टिरॅनस (Sophocles-Oedipus Tyranus), युरिपिडीया-ट्रोजन विमेन, हिपोलिटस, मीडीअ ( Euripidea-Trojan Women, Hippolytus, Medea ) ॲरिस्टोफेनीस – द नायट्स, द क्लाउड्स (Aristophanes ( The Knights, The Clouds) ) गुलाम अँड्रोनिकस

(Gulam Andronicus), प्लॉटस (Plotinus), टॅरॅन्स (Terrance), सेनिका ( Senica)हे आदल्या काळांतले कांय मुखेल ग्रीसी नाटककार जावन आसात.

**आधुनीक नाटक** : प्राचीन नाटककारांच्या मता प्रमाण 'समाजशिक्षण' हें नाट्यकलेचें प्रयोजन आसलें. संवसारांत सुखदुख्खाची भरसण आसली तरी जगाची नदर चैतन्यमय आनी सुखकारक अशा जीवनतत्त्वांचेर आदारिल्ली आसा हो सिद्धान्त नाटककारान बाळगुपाची गरज आसा. 'नाटक पळेतकच जीवनांतल्या मुल्यां संबंदींचो भावार्थ वाडचो आनी नाट्यकृतीचो आस्वाद घेतल्या उपरांत सत्यम् शिवम् सुंदरम्चो साक्षात्कार जावंचो' हाची जतनाय नाटककारान दवरची हो प्राचीन नाटककारां खातीर फकत संकेत न्हय, जाल्यार सिद्धांत आसलो.

### 2.3.1 कोंकणी नाटकाचो इतिहास

संवसारांतल्या सगळ्या भासांतल्या नाटकाचो इतिहास लोक संस्कृतायेंतल्यान प्रगट जाता. थंयच ताची सुरवात जाल्या अशी मानतात. कोंकणी नाटकाचो इतिहासूय असोच कोंकणी लोकवेदांतल्यान आरंभ जाला. जागोर, रणमाले, खेळ आनी कालो सारख्या नाट्यप्रकारांतल्यान कोंकणी नाटकाचें मुळावण दिसता.

नाटक हो गोंयकाराच्या दायजाचो महत्वाचो घटक आसा . गांवागांवांतल्या लोक कलाकारानी गोंयची नाट्यभुमी जिवी दवरली म्हूण गोंयचे नाट्यकलेक पोसवण दिली.

गोंयात आयज कितलीशींच नाटकां सादर जातात. गोंय मेकळे जावच्या आदीं गोंयांत वेगवेगळ्या उत्सवा निमतान हीं नाटकां जायत आयल्या. सुरवातीच्या काळार गोंयांत मराठी भाशेंतल्यान नाटकां सादर जातालीं. तीं महाराष्ट्रांतल्या मराठी नाटय लेखकांनी बरयल्लीं. इतिहासीक , पुराणीक , समाजीक आनी काल्पनीक अश्या साबार विशयांचेर नाटकांची पुस्तकां गोंयकारांक सहजरितीन मेळटाली. वेवसायीक रंगभुंयेवेल्या महाराष्ट्रांतले नामनेचे कलाकार महाराष्ट्रांतल्यो नाट्यसंस्था आपल्यो नाट्यकृती गोंयांत टिकेटी लावून सादर करताले. ह्या नाटकांनी आनी नाटककारांनी सादर केल्लीं नाटकां पळोवपाक कोंकणी मोगी वताले. आर्विल्या कोंकणी नाटकांची बुन्याद शणै गोंयबाबान घाली.

ताणें फ्रेंच नाटककार मॉलियेर हांच्या नाटकांचो रूपकार केलो 'मोगाचे लग्न' (Molière's Le Medicin Malagre Lui) आनी 'पोवनाचें तपलें' (L'avare) ह्या नांवांन ताचीं हीं नाटकां उजवाडाक आयल्यात. 'झिलबा राणो' (Arabian Nights) हें नाटक अरेबियन नायट्सांतल्यान अबू हसन हें काणयेचेर आधारीत आसा. ते भायर ताणें शेक्सपियराच्या कांय खेळांचो अणकार केला. शणै गोंयबाबाच्या काळारूच आचार्य

रामचंद्र शंकर नायक उर्फ राणू नायक हे नाटककार मुखार आयले. ताणें कितल्योश्योच एकांकी आनी नाटकां बरयलीं.

पुंडलीक नारायण शणै दांडे उर्फ पुंडलीक दांडो हे नाटककार मुखार आयले 'तांची करामत' आनी 'निमित्ताक कारण' ही नाटकां उजवाडाक आयल्यात. कृष्णा लक्ष्मण मोये हांची 'तुळशीचें लग्न' आनी 'कृष्णावाडी' हीं नाटकां माचयेर आयल्यात.

19व्या शेंकड्यांत मुंबय कॉलेजींत शिकपा खातीर गेल्ल्या गोंयकार विद्यार्थ्यांनी थंय साहित्य मंडळा स्थापन केली आनी कोंकणी नाट्य चळवळीक उर्बा दिली. तांणी सर्ती घडोवन हाडल्यो. हे सर्तींच्या निमतान कितलेशेच नाटककार मुखार आयिल्ले.

1973 वर्सा गोवा कला अकादमी कोंकणी नाट्य सर्त सुरू जाली आनी कोंकणी नाटक चळवळ उर्बा मेळ्ळी नवे लेखक, नवे दिगदर्शक, कलाकार कोंकणी नाट्य चळवळीन मुखार सरले. कोंकणी भाशा मंडळ आनी वसुर्की नाट्य लेखन सर्त सुरू केली. पणजें आकाशवाणीचेर रेडिओ नाट्य लेखन सर्त चालू जाली आनी ह्या वातावरणांत यशस्वी असो कोंकणी नाटकाचो आनी नाट्य चळवळीचो प्रवास सुरू जालो. ह्याच वातावरणांत पुंडलीक नारायण नायक हे जबरदस्त तांकिचे नाटककार मुखार आयले. ताणें कोंकणी जिवी लोकसंस्कृताय आपल्या नाटकांतल्यान लोकां मुखार हाडली कोंकणी नाटकांक दर्जो आनी प्रतिष्ठा मेळोवन दिली. तांचीं गजिल्लीं नाटकां म्हळयार 'खण खण

माती', 'श्री विचित्राची जात्रा', 'देमांद, 'दायज', 'सुरींग', 'चैतन्याक मठ ना', ' कांसुलो', आदी .

एन् .शिवदास हांणी कांय नाटकां रचल्यात 'पिसार', 'फॉरन जावंय' हीं तांचीं फामाद नाटकां बरयल्यात. दिलीप बोरकार हाणें 'वर्गशूत्र', 'आण्टीची गादी' हीं नाटकां बरयल्यात.

प्रकाश थळी हे एक हुशार दिगदर्शक आनी अणकारपी. ताणें बरीचशीं नाटकां मराठी आनी बंगाली भाशेंतल्यान कोंकणींत हाडल्यात. बंगालांतलें अबू हसन हें नाटक 'एक आशिल्ले अबू' ह्या नांवांन कोंकणी हाडलां. मराठींतले ' लेकुरे उदंड जाली' हें नाटक 'भुरगीं बाळां जळामळा' ह्या नांवांन कोंकणींत हाडलें.

सर्गेस्त रविंद्र नमशीकार, देविदास हेवूच कोंकणींतले नामनेचे नाटककार तशेच विष्णू सुर्या वाघ हाणें मराठी नाटकां बरोबर कोंकणींतलीं नाटकां बरयल्यात. दत्ताराम बांबोळकार हांची 'शेणिल्लो गांव', 'डॅडी', 'वनमोहोत्सव' हीं कांय उल्लेख करपा सारखीं नाटकां आसात.

आयज गोंयांत सर्ती निमतान कितलीशींच नाटकां मुखार येतात. साबार नाट्य संस्था प्रभावी रितीन आपलें नाटक माचयेर सादर करपाचो यत्न करता. सर्ती निमतान एक

दर्जो कोंकणी नाटकाक फावो जाला. नवे कलाकार, नवे दिगदर्शक आनी, नवे लेखक कोंकणी नाटकाक मेळत आसा. सामाजीक, राजकी, विनोदी, गंभीर अश्या विशयांचेर नाटकां आयज जातात. बाबा प्रसाद हांचीं नाटकां अशीं आसात 'येरे म्हज्या मागल्या', 'सगळें म्हाकाच', 'चोरयेचें श्रेय', 'उदरगतीचे बळी' , 'दिसलें आनी फसलें' , 'ट्यूशन कमिशन', 'स म्हयनें पासिंयेस', 'सस्पेकटेड सस्पेंन्स', 'चेडूं दाखोवन म्हारूं घरांत', 'कारण नासतना', 'जालें उरफाटें', 'तळयेंतलीं भुतां', 'गोंय, गोंयकारपण आनी अस्मिताय', 'भूंय म्हजी भांगराची', 'तेलूच गेलें आनी तुपूय गेले' आनी 'बंद वाट' .

राजय पवार हांचीं नाटकां अशीं आसात . 'अंता अंता शिरिमंता', 'आमचो हात जगन्नाथ, 'डरने का नाय', 'जमलें रे जमलें' , 'नाटक एक नाटकाचें', 'टॅशन फ्री' ही नाटकां बायल्यात.सम्राट बोरकार हांचीं नाटकां अशीं आसात 'डबल ट्रबल', 'आमी ते ब्रहाचारी', 'माल आपना फुलय सपना' ही नाटकां बायल्यात.

प्रकाश वजरीकार हांचीं नाटकां अशीं आसात : 'आनी एक बुटो फुलो', 'घट्टाण कोणाचें?', 'तो एक दीस' ,'साद अंतर्मनाचो', 'द रायट टू वोट', 'आनीक एक प्रस्न पर्व', 'दो रे मी फा.....सा रे नी सा', 'भूंय म्हजी भांगराची' , आदी .

अशें तरेन ह्या वयल्या नाटककारांनी आनी तशेंच हनुमंत चोपडेकार, महेश नायक, भरत नायक, आदी हया नाटककार कोंकणी नाटकांत सातत्यान योगदान दितात.

# तिसरें प्रकरण : वाक्प्रचार -व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी

प्रस्तूत प्रकरणांत ‘ वाक्प्रचार – व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी’ ह्या माथाळ्या खाला दोन तकटे मांडल्यात .

पयल्या तकटयांत कोंकणी नाटककांराची रितसर वळेरी केल्या. उपरांत त्या नाटककांरानी जीं नाटकां बरयल्यात वा प्रकाशीत केल्यात तांची वळेरी केल्या आनी दर एका नाटककारांच्या नाटकांची टक्केवारी दिल्ल्या.

देखीक : पुंडलीक नारायण नायक हांणी 30 नाटकां बरयल्यात जाल्यार ह्या 30 नाटकांचे टक्के 24 येता. तर पुंडलीक नायक हांची फक्त 5 – 6 नाटकां अभ्यासाक घेतल्यात. अशे तरेन सगळ्या नाटककारांच्या नाटकांची टक्केवारी करून दर एका टक्क्या प्रमाणान जीतलीं नाटकां येतात तांचो अभ्यास केला.

दुसऱ्या तकटयांत कोंकणी नाटककांराची रीतसर वळेरी दिल्ल्या ( 1971 – 2030 ) हो दशक घेतला. दर एका नाटककारांचीं नाटकां दशका प्रमाण मांडल्यात.हया तकट्याच्या आदारान खंयच्या दशकांत चड नाटकां बरयल्यात तें कळून येता.


देखीक : एकूण 34 नाटकां आसात जाल्यार

1971-1980 ह्या काळांत फक्त 2 नाटकां मेळटात.

1981-1990 ह्या काळांत फक्त 4 नाटकां मेळटात.

अशें तरेन नाटकांची विभागणी दशका प्रमाण केल्या.

## तकटो 3.1 :कोंकणी नाटककार, नाटकां आनी टक्केवारी



## तकटो 3.2 : कोंकणी नाटककार, नाटकां आनी दशका प्रमाण केल्ली

| नाटककांर | 1971-1980 | 1981-1990 | 1991-2000 | 2001-2010 | 2011-2020 | 2021-2030 |
|---|---|---|---|---|---|---|
| 1. तन्वी का. बांबोळकार | | | | | | - अनवाणी (2023) |
| 2. हनुमंत चोपडेकार | | | | - कैदी नंबर ००१ (2008) | - तीन मामा एक ड्रामा (2015) | - दम दमा दम (2021) |
| 3. उदय भेंब्रे | | | | | - कर्णपर्व (2013) | |
| 4. जयंती नायक | | | | - कुकमादेवीची दिपमाळ (2009) | | |
| 5. दत्ताराम का.बांबोळकार | | | | - डॅडी (2001) | | |
| 6. पुंडलीक नायक | - खण खण माती (1977)<br><br>- देमांद (1980) | -श्री विचित्राची जात्रा (1986)<br><br>- दायज (1990) | - चैतन्याक मठ ना (1991)<br><br>- प्रेमयुद्ध (2000) | - कांसुलो (2002) | - फिंर्गी फटास (2011) | |
| 7. बाबा प्रसाद | | | | | - येरे म्हज्या मागल्या (2011)<br><br>- चेडूं दाखोवन म्हारूं घरांत (2020) | - तेलूच गेलें आनी तुपूय गेले (2022) |
| 8. दिलीप बोरकार | | - वर्ग शुत्रू (1982) | | | | |

| | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|
| | | - आण्टीची गादी (1989) | | | | |
| 9. सम्राट बोरकार | | | | - डबल ट्रबल (2008)<br><br>- माल आपना फुलय सपना (2009) | | |
| 10. भरत रघुवीर नायक | | | - नंबर ३६ (1996) | - हय सायबा (2007) | | |
| 11. महेश चंद्रकांत नायक | | | - ॲक्शन मे (1998) | - ऑल इज वेल (2010)<br><br>- आठ दोळे बारा हात (2018) | आटक माटक बायलां नाटक(2012) | |
| 12. राजय पवार | | | | - आमचो हात जंगनाथ (2007)<br><br>- नाटक एक नाटकाचें (2010) | - टॅशन फ्री (2013) | |
| 13. प्रकाश वजरीकार | | | | - आनी एक बुटो फुलो (2004) | - द रायट टू वोट (2015) | - भूंय म्हजी भांगराची (2021) |

## 3.1 वाक्प्रचार- व्याख्या

खंयचेय भाशेंत म्हणीक जितलें म्हत्व आसा तितलेंच म्हत्व वाक्प्रचाराक आसा. मनीस सदच्या जिणेंत वाक्प्रचारांचो वापर करता.

सविता सिरसाट ही आपल्या 'मराठी म्हणी, वाक्प्रचार आणि उखाणे यातून घडणारे लोकजीवन दर्शन' ह्या प्रबंधांत बरयता :

"वाक म्हणजे 'वाणी' आणि प्रचार म्हणजे 'रुढी' किंवा 'प्रपात' म्हणून रुढीने लोकभाषते रुळलेल्या भाषिक प्रयोगाला 'वाक्प्रचार' असे म्हटले गेले आहे". (सिरसट,81)

1. आलबर्ट सिडनी हांणी आपल्या ऑक्सफॉर्ड कोशांत वाक्प्रचाराची व्याख्या दिल्या ती अशी आसा :

"A group of words whose meaning is different from the meaning of the individual words" (Sydney,78 )

( स्वैर अणकार: स्वतंत्र उतरा परस शब्दांच्या समुहाचो अर्थ वेगळो आसता.)

2. ग्लिक्सबर्ग वाक्प्रचाराची व्याख्या आपल्या पुस्तकांत बरयता :

"Idioms are the subset of the fixed expressions in a language community" (Glucksberg,56)

(स्वैर अणकार:भास समुदायांतल्या स्थीर अभिव्यक्तींचो उपसमूह वा उपवर्ग म्हळ्यार वाक्प्रचार) .

3. मराठी भाषेचे वाक्प्रचार,म्हणी आनी इत्यादि ह्या पुस्तकांत शंकर जोशी वाक्प्रचारांची व्याख्या बरयता :

"मूळ अर्थापेक्षा भिन्न अशा विशिष्ट अर्थान रुढ झालेल्या शब्दसमूहाला वाक्प्रचार असे म्हणटात " (जोशीं,8 )

(स्वैर अणकार:मूळ अर्था परस एका विशिश्ट अर्थान रूढ जाल्ल्या शब्दांच्या समूहाक वा गटाक वाक्प्रचार अशें म्हणटात.)

4. ओमप्रकाश गुप्ता ह्या लेखकांन मुहावरा मीमांसा ह्या पुस्तकांत वाक्प्रचाराची व्याख्या बरयल्या ती अशी आसा :

"लक्षणा या व्यंजना द्वारा सिद्ध वाक्य या प्रयोग,जो किसी एक ही बोली या लिखी जानेवाली भाषा मे प्रचलित हो और जिसका अर्थ प्रत्यक्ष से विलक्षण हो"। (गुप्त, 07 )

(स्वैर अणकार:लक्षणां वा व्यंजनांच्या माध्यमांतल्यान तयार जाल्लें वाक्य वा प्रयोग, जो खंयच्याय एका बोलयेंत वा बरयतात ते भाशेंत लोकीवंत आसा आनी जाचो अर्थ मूळ अर्था परस वेगळो आसता.

## 3.2 वाक्प्रचाराचें संकलन -अर्थावणी आनी देखी

**अ**

1. अपसरण ओडून घेवप – स्वताक त्रासांन घालप

   वाक्य – सुण्यांचेर फातर मारून फरानांन आपूण जावन तें अपसरण ओडून घेतलें.

**आ**

2. आंगाक कापरो भरप – भंयान थरथरप

वाक्य – सोरोप पळोवन राधिकाच्या आंगाक कापरो भरलो.

3. आंग काडप – भंय दिसप

वाक्य – रातची आपलीच सावळी पळोवन हांवें कच्च करून आंग काडलें.

4. आंग चोरून घेवप – स्वताचें अस्तित्व लिपोवपाचो यत्न करप

वाक्य – म्हजो आवडटो कलाकार जेन्ना म्हज्या फुडयांत आयलो तेन्ना हांवेंन म्हजें आंग चोरून घेतलें.

5. आंगार कांटो फुलप – खूब भंय दिवप

वाक्य – कोवीडाच्यो खबरो आयकून पवनाच्या आंगार कांटो फुल्लो.

6. आपल्या धुंदींत आसप – आपल्या विचारांनी मग्न आसप

वाक्य – लिना शाळेंच्या वर्गीत सद्दांच आपल्यांत धुंदींत मग्न आसता.

7. आपल्या पांयार आपणें फातर मारप – स्वताक त्रासांत घालप

वाक्य – राम हेराची झगडी सुटोवपाक गेल्लो आनी तांणी आपल्या पांयार फातर मारून घेतलो.

**इ**

8. इज्जतीचो फालुडा करप – लज जावप / दुसऱ्याक लज करप

वाक्य – चार चवगां मर्दीं जेमीन आपल्या इश्टाच्या इज्जतीचो फालुडा केलो.

**उ**

9. उजरावन काडप – खूब तापोवप

वाक्य – चोरी केली म्हूण आवयन भुरग्यांक उजरावन काडलें.

**क**

10. कडकी लागप – आर्थीक चणचण आसप

वाक्य – काम नाशिल्या कारणान सुरजाच्या बोल्साक कडकी लागल्या.

11. कपलार आंठ्यो पडप – बेजारप

वाक्य – पणजें पावून पलकाक कळ्ळें की आयज कॉलेज ना म्हूण तेन्ना ताच्या कपलार आंठयो पडल्यो.

12. कपलार हात मारप – नशिबाक दोश दिवप

वाक्य – भुरगें हाता भायर गेलें तेन्ना दामून कपलार हात मारलो.

13. कश्ट फळाक येवप – यश मेळप

वाक्य – एनीन खूब अभ्यास केल्लो म्हूण निमाणें कडेन ताच्या कश्ट फळाक आयलें.

14. कश्ट करून पोट भरप – दीस रात काम करप / खूब कश्ठ करप

वाक्य – शेतकार कश्ट करून आपले तशेंच हेरांचेय पोट भरता.

15. काळीज दुबळें आसप – ताण सोसपाची तांक नासप

वाक्य – बायल मेल्या उपरांत दुमीगाचें काळीज दुबळें जाला.

16. कानसूल फुलोवप – पोल्यांर थापट मारप

वाक्य – चड मस्ती करता म्हूण बापायन चल्याचीं कानसुलां  फुलयलीं.

17. कानांत फुतफुतप – चाडयो सांगप

वाक्य – रिमा आपल्या इश्टाच्यो गजाली अनिलाच्या कानांन फुतफुतून सांगपाक लागलें.

18. कान लावन बसप – बारीकसाणेन आयकप

वाक्य – शाळेंत विनय रमेशाक गजाली सांगता त्यो उमेश कान लावन आयकतालो.

19. कानार घालप – एखादे व्यक्तीक वचून सांगप

वाक्य – रमेश वाळेस भुरग्यां बरोबर फिरता हें शिक्षिकेन आवय - बापायच्या कानार  घालें.

20. काळजाक चटको बसप – दुख्ख जावप

वाक्य – काल हांव रोमाच्या खबरीक गेल्लें तेन्ना ताणें सांगिल्ली खबर आयकून म्हज्या काळजाक चटको बसलो.

21. काळजांक पीळ घालप – अती दुख्ख जावप

वाक्य – शारूक काल झगडीं करतना म्हज्या काळजांक पीळ घालपी उतरां उलयलो.

22. कामांत गुल्ल जावप – मन लावन काम करप

वाक्य – पुर्वी आपल्या कामांत सामकें गुल्ल जाल्लें.

23. कावळ्याची नदर आसप – बारीक नदर आसप

वाक्य – फिलूची नदर सामकी कावळ्याची कारण ते बारिकांतली बारीक वस्त रोकडेच सोदून काडटा.

24. कितल्या पाणयांत उबो आसा ते कळप – लायकी कळप

वाक्य – गणितांत कमी गूण मेळ्ळे तेन्ना राजूक आपूण कितल्या पाणयांत उबो आसा तें कळ्ळें.

25. कुस्कूट खबर नासप – कांय खबर नासप / कसलीच जाण नासप

वाक्य – घरांत किर्ते चल्ला ताचें रमेशाक कुस्कूट खबर नासता.

26. कुकमाचो आदार आसप – नांवा पुरत्या फायदयाचो आसप

वाक्य – म्हजो व्हड भाव नेहल फकत कुकमांच्या आदरा पुरतोच आसा.

**ख**

27. खोशयेचो हुंवार येवप – उपाट खोस जावप

वाक्य – राधाचो धाव्वेचो निकाल लागलो आनी घरांत खोशयेचो हुंवार आयलो.

28. खोशयेन भुरकुटप – खूब खोशी जावप

वाक्य – खेळणी पळोवन ल्हान भुरगीं खोशयेन भूरकुटून वतात .

**घ**

29. घामाघूम जावप – थकप / भंय दिसप

वाक्य – आवयक फट सांगतना रमेश घामाघूम जालो.

30. घाया वयली खवळी निखळप- पोन्ने दुख परतून याद जावन

वाक्य – काल उलयता उलयता राजून रमेशाची घाया वयली खवळी निखळायळी.

**छ**

31. छाती फुगोवप – अभिमान दिसप

वाक्य – बशीराक परिक्षेक पयलें रेनक मेळ्ळो म्हण ताची छाती फुल्ली.

**ज**

32. जिवाचें कट्टें करून राखप – खूब जीव घालप

वाक्य – आवय बापूय आपल्या जिवाचे कट्टें करून भुरग्याची राखण करतात.

33. जीब जड जावप – तोंडांतल्यांन उतरां सुटप ना

वाक्य -  फटींग उलयतना आवयन धरलें तेन्ना म्हजी जीब जड जाली.

34. जिवार उठप- जिवाक त्रास करप

वाक्य – दुस्मान देशभक्तांच्या जिवार उठिल्ले.

35. जीव आकूळ पिकूळ जावप – ताणांत भंय दिसप

वाक्य – दुयेंत आवयक पळोवन म्हजो जीव आकूळ पिकूळ जालो.

36. जीव घेणो खेळ खेळप – स्वताक त्रासांत घालप

वाक्य – फिरोज उदकांत जीव घेणे खेळ खेळटा.

37. जीव वयर सकयल जावप – कासावीस जावप

वाक्य – बाजारांतल्यान घरा चलत वता म्हणसर म्हजो जीव वयर सकयल जालो.

**त**

38. तकली जाग्यार नासप – लक्ष नासप

वाक्य – आयज काल सुमनाची तकली जाग्यार नासता.

39.तकलेचो फार जावप – खूब राग येवप

वाक्य – बुधवाराक शिवराक जेवण पळोवन बाबलींचे तकलेचो फार जालो.

40.तकली पिकार करप – राग  हाडप

वाक्य – ल्हान आसतना रेमा आपल्या आवयची तकली पिकार करताले.

41.तकली जाग्यार नासप – लक्ष ना लागप

वाक्य – अभ्यास करताना सुमनाची तकली केन्नाच जाग्यार नासता.

42.तावडींतल्यान सुटप – हातांत मेळिल्ले कडेन पळून वचप

वाक्य – चोर पुलिंसाच्या तावडींतल्यान सुटून गेलो.

43. तोंडाक लागप – झगडी करप

वाक्य – सदांच शाळेंत भुरगीं म्हज्या तोंडाक लागतात.

44. तोंडां बंद करप- कृत्तीन जाप दिवप

वाक्य – परिक्षेंत बरें गुण घेवन फ्रांस्सिकान ताची नसाय करतल्यांचें तोंड बंद केलें.

45. तोंडाक लाळ येवप – रूच येवप / खायनशें दिसप

वाक्य – गरम गरम बटाटवडो पळोवन कायतानाच्या तोंडाक लाळ आयली.

46. तोंडार सात रंग उदेवप – खूब खोशी जावप

वाक्य – घरांत नवें मांजर पळोवन म्हज्या तोंडार सात रंग उदेले.

47.तोंडांत साखर पडूं – उलयल्लें घडून येवं

वाक्य – रमेशाक सरकारी नोंकरी मेळूं अशें ताच्या मामान म्हळळें तेन्ना रामेशाच्या आवयन  तुज्या तोंडांत साखर पडूं दी अशें म्हणलें.

48.तोंड वाकडें करप – बेजारप / निरशेवप

वाक्य – चॉकलेट हाडली ना म्हूण राजून तोंड वांकडें केलें.

49.तोंडाक लागप- झगडप

वाक्य – बसीत जनेला कडेन बसपा वयल्यान सुधा आनी झमिरा एकामेकांच्या तोंडांक लागली.

**थ**

50. थपकल मारून बसप – निराश जावप

वाक्य – आपूण दोन विशयांनी फेल जाला म्हूण रीना थपकल मारून बसलें.

51. थतर वितर जावप – भंयान चित्त लागप ना

वाक्य – फाल्या बारावीच्या परिकक्षेचो निकाल म्हूण रेणूक सांगलें तेन्ना तें थतर विथर जालें.

**द**

52. दांत ओंठ खावप – भरपूर राग येवप

वाक्य – रिझवान फट उलयलो देखून बापायन रागान दांत ओंठ खाले.

53. दांत विचकावन हांसप- खूब हांसप

वाक्य – रोहन पडलो म्हूण वर्गातली सगळीं भुरगीं ताका पळोवन दांत विचकोवन  हांसलीं.

54. दुसऱ्यांच्या नाडयार घरां उबारप – दुसऱ्याच्या खुस्तार आपलें सादोवन घेवप

वाक्य – आलबनान आपल्या व्हडल्या भावाच्या नाडयार घर बादलें.

55. दिश्ट लागप – वायट नदर लागप

वाक्य – ल्हान भुरग्यांक रोखडीच दिश्ट लागता.

56. दोळ्यांन तेल घालून राखण करप – काळजी करप

वाक्य – मारियाक जोर येतालो तेन्ना ताची आवय-बापूय दोळ्यांनी तेल घालून ताची राखण करताली.

57. दोळे तृप्त जावप – धादोशी जावप

वाक्य – ताच्या गळ्यांतलो भांगराचो हार पळोवन म्हजें दोळे तृप्त जालें.

58. दोळ्यांक उदक लावप – फटींग सांगप

वाक्य – आवयच्या दोळ्यांक उदक लावन सदा इश्टा वांगडा भोवपाक गेलो.

59. दोळे फोडून राग येवप -खूब राग येवप

वाक्य – ल्हान भावान म्हजें पुस्तक पिंजलें तेन्ना म्हाका ताचो दोळे फोडून राग आयलो.

60. दोळे फुटप – दुसऱ्याचें बरें जाल्लें सहन ना जावप

वाक्य – शेजाऱ्यान एक नवीन गाडी घेतली ते पळोवन रिमाचे दोळे फुटले.

**ध**

61. धारेर धरप – तिडकीन वा तापोवन उलोवप

वाक्य – अभ्यास करूंक ना म्हूण टिचरीन भुरग्यांक धारेर धरले.

62. ध्यास घेवप – लक्ष केंद्रीत करप

वाक्य – शनायान ध्यास घेवन प्रबंधिकेचो वावर पुराय केलो.

**न**

63. नदरेंनूच दटायता – दोळयांचो उपेग करून भंय घालप

वाक्य – शाळेंत टिचरीन रिमाक नदरेंनूच दटायलें.

64. नाकाक काळें लागप – लज जावप

वाक्य – पुतान लाखांचो पयंशाचो घोंटाळो करुन नाकाक काळें लायलें.

65. नाक कातरप -लजेन पडप

वाक्य – शिकिल्या सवरिल्ल्यां भुरग्यांनी नाका जल्ली मस्ती करून आपल्या आवय बापायचें नाक कातरप योग्य न्हय.

66. नायनाट करप – सत्यानाश करप

वाक्य – शालून आपल्या नव्या फोनाचो नायनाट केलो.

67. न्हिदूच उडून वचप – भंयाक लागून मन अशांत आसप

वाक्य – फाल्यां एकाच बरोबर दोन आय एस ए आसात हे जेन्ना आदल्या राती म्हाका सांगले तेन्ना म्हजी न्हिदूच उडून गेली.

**प**

68. पडिल्लो दांत कसो उलोवप – दुसऱ्यांच्या उलोवण्यांत मदीं उलोवप

वाक्य – रोझालीन सद्दा दुसऱ्यांच्या भानगडीत पडिल्लो दांत कशें उलयता.

69. पांखां फुटप – कोणाची पर्वा करप ना / स्वताक हुशार समजप

वाक्य – भुरगीं व्हड जातकच तांकां पांखां फुट्टात.

70. पावलां अडखळप – सांगपाक फाटीं फुडें जावप / भंय दिसप

वाक्य – भावा बद्दल बापाय कडेन फटींग उलयतना राजुचीं पावलां अडखळ्ळी.

71. पालवा पोंदा धापप- चूक लिपोवप

वाक्य – आवय आपल्या भुरग्यांची सद्दांच चुको आपल्या पालवा पोंदा धांपता.

72. पित्त खवळप – तिडक येवप

वाक्य – टॉनी सांगी नासतना ट्रक घेवन गेलो म्हूण बापायचें पित्त खवळ्ळें.

73. पिकासांव जावप – नुकसान जाल्ल्याचें वायट दिसप

वाक्य – बाबलाचें पांचशीं रुपया जात्रेंक शेणलें आनी ताका पिकसांव जालें.

74. पुण्याय फळाक येवप – यश मेळप

वाक्य – बरें काम करपी मनशांची पुण्याय फळाक येवपाक वेळ लागना.

75. पेरगांव घालप -खबर गांवभर करप

वाक्य- सून कांयच काम करिना म्हूण शालीन पेरगांव घातलें.

76. पोटाक उजो लागप – खूब भूक लागप

वाक्य – काल दनपारच्या लॅकचरा वेळार म्हज्या पोटाक उजो पेटिल्लो.

**फ**

77. फालांनी उलोवप – फटींग उलोवप/ बड्डायो मारप

वाक्य - रिमा आमचें कडेन सद्दांच फालांनीच उलयता.

**ब**

78. बळजबरी करप- आंगार हात घालप

वाक्य- काल त्या चल्यान एक चलयेचेर बळजबरी केली.

79. बुद्ध धोपरांत आसप – कमी अक्कल आसप

वाक्य – राकेश इतलो शिकलो तरी तांची बुद्ध आजूनय धोपरांनीच आसा.

80.बिर्मत फुटप – चुकी खातीर पानवळ भोगप

वाक्य - संजयाची बिर्मत फुटलीं म्हण तो आयज काल दुखी आसता.

**भ**

81. भयंकर चालू आसप – मालकिर्याद आसप

वाक्य – रोजलीन ल्हानपणा सावन भयंकर चालू आसा.

82. भकीक पडप – त्रासान पडप / जाळयांत फसप

वाक्य – फैजल आनी रोहन जुगाराच्या भकीक पडले.

83. भायर कान किटून येवन - नाका जाल्ल्यो गजाली आयकून बेजारप

वाक्य – मावशी बायच्यो खबरो आयकून म्हजे कान किटून आयले.

84. भितरले कातीचो आसप – हुशार आसप

वाक्य – आमचो शेजारी ओमकार हो  सामको भितरले कातीचो
आसा.

**म**

85. मदींच तोंड खुपसवप – मदींच उलोवप

वाक्य – हांव आवय कडेन उलयता तेन्ना म्हजी ल्हान भयण मदींच आपलें
तोंड खुपसायता.

86. मस्तकाक भिरभिरी मारप – खूब राग येवप

वाक्य – भुरगीं सांगिल्लें आयकन तेन्ना आवय बापयच्या मस्तकाक
भिरभिरी मारता.

87. मन घट करप – त्रास सोंसून घेवप / त्रास सोंसप

वाक्य -  जाण्टो बापूय सिरियस आसा म्हूण जेन्ना कळळें तेन्ना ताच्या
भुरग्यांनी आपलें मन घट केलें.

88. मनाक लावन घेवप -दुखी जावप

वाक्य – राजूची खर उतरां रामान आपल्या मनाक लावन घेतली.

89. म्हारगाय मळबाक तेंकप – मोल वाडप

वाक्य – हालीं लसुणेची म्हारगाय मळबाक तेंकल्या.

90. माज चडप – स्वताक व्हड समजप

वाक्य – पयसो हातांत येतकच कांय लोकांक माज चडटा.

91. मातयेभरवण जावप – नश्ट जावप

वाक्य – मेलिसा नापास जावन ताणें आपल्या बापायचीं सपनां मातयेभरवण केलीं.

92. मुस्क्ट फोडप – तोंडार थापट मारप

वाक्य – सुबेज उलयता म्हूण बापायन शालुचे मुस्कट फोडलें.

**य**

93. येऱ्याचें भेरें करप – एक खबर आयकून ताचो भलतोच अर्थ काडून सांगप.

वाक्य – शेजाऱ्यांच्यो खबरी सोजालीन आमकां येऱ्याचें भेरें करून सांगता.

**र**

94. रागान फडफडप – खूब तिडक येवप

वाक्य – बापूय नरेशाक चार बऱ्यों खबरी सांगताना तो मद्दीच उठून गेलो तेन्ना ताचो बापूय रागान फडफडपाक लागलो.

95. रागाक सामको वाग जावप – खूब राग येवप

वाक्य – आमचो बाबू रागाक सामको वाग जाता.

**ल**

96. लाळे गोळे करप – लाड करप / अपुरबाय करप

वाक्य – आवय रेमेताक लाळे गोळे लावन अभ्यास कर म्हूण सांगता.

97. लाग मारप – नखरें करप

वाक्य – मारियाक मातसों फॉन दी म्हूण सांगलें तेन्ना तें लाग मारपाक लागलें.

**श**

98. शीण काडप – मोग आसा म्हण बेजारप

वाक्य – लग्नाक आयलें ना म्हण व्हनिबायन सेजलाचेर शीण काडलो.

99. शी थू करप – दुसऱ्या बद्दल वायट उलोवप

वाक्य – राहुलाची चोरी सापडली तेन्ना लोकांनी ताचे शी थू केले.

100. शेळो घाम सुटलो – भंय दिसप

वाक्य - फारूख घरांत एकटो आसतना ताका विचित्र आवाज आयकूंक आयलो तेन्ना ताका शेळो घाम सुटलो.

101. शेंपडेर पांय दवरप – वाटेक वचप

वाक्य - हांव वग्गी बसून म्हजें काम करतालो तेन्ना दुर्वान मुद्दम
म्हज्या शेंपडेर पांय दवरलो.

**स**

102. सांगपाक फाटी फुडें जावप – सांगपाक अनमनप

वाक्य – रमेश आपल्या खुनी इश्टाची खबर पुलीसांक सांगपाक फाटी
फुडें जालो.

**ह**

103. हताश पावप – निराश जावप

वाक्य – भुरग्यांनी कमी गूण घेवन आपल्या आवय बापायक हताश करप
योग्य न्हय.

104. हड्डें अभिमानान फुलप- खूब खोशी जावप

वाक्य – पूर्वा बऱ्या गुणानी पास जालें म्हूण ताच्या बापायचें हड्डें
अभिमानान फुल्लें.

105. हात हुलपावन घेवप - जबर लुकसाण सोंसप

वाक्य – दुदाच्या धंदयांत कायतानाचे हात हुलपल्ले.

106. हागतां हागातां धांवप – पळ काडप

वाक्य – उमरान काजिनी वाघाक पळयलो आनी तें हागतां हागातां धावलें.

107. हात मारप – चोरी करप

वाक्य – आयज काल हात मारपाच्यो खबरी खूब आयकपाक येतात .

108. हात कांबरून शाणेपणा सांगप – स्वताक सांबाळून दुसऱ्यांक शाणतणां सांगप

वाक्य – रेमेत आपले हात कांबरून हेमूक व्हडली व्हडली शाणेपणां सांगपाक लागलो.

109. हात मोटवे पडप – दुसऱ्यांक मद्दत करपाक फाटीं पडप

वाक्य – ल्हान भाव नवे घर बांदतना ताका आदार करपाक म्हजे हात मोटवे पडले.

110. हाडांचीं काडां करप – खूब कश्ट करप

वाक्य – वसंतान घर बांदून काडटा म्हणसर हाडांचीं काडां केलीं.

111. हाताभायर वचप – कांयच आयकून घेवप ना

वाक्य – आवय बापायच्या हाताभायर भुरगीं वचपाक लागतात तेन्ना ती पाड जावपाक  पावतात.

112. हात कांबरूनवगी रावप सोंपे – सुशेगाद रावप

वाक्य – कांय लोक कसलोच वावर करिना पूण बड्डायो मारता आनी आपूण हात कांबरुनवगी रावतात.

113. हात हालयत येवप – रिकाम्या हातीन येवप

वाक्य – बाजारांतल्यान घरा येतना राणी हात हालयत आयलें.

114. हाता भायर वचप- वायट मार्गाक लागप

वाक्य – वायट संगंतीक लागून राजू हाता भायर गेलो.

115. हुमसून हुमसून रडप – खूब रडप

वाक्य – शाळेंत मस्ती करता म्हूण टिचरीन रोशनाक माल्लो तेन्ना तो हुमसून हुमसून रडपाक लागलो.

# चवथें प्रकरण : म्हणी – व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी

## 4.1 म्हणी- व्याख्या

1. म्हण म्हणल्यार अणभवानी कोरायिल्लो लोकमंत्र भौसाची शाणेपणां आनी एक एकल्याची अक्कल दाखोवपी माणकुली व्याख्या" अशें श्याम वेरेंकार आपल्या गोंयच्या लोकवेदाचो रूपकार ह्या पुस्तकांत बरयता. (वेरेंकार, 94)

2. "म्हण ही मनीस कुळा इतलीच पोरणी जी जाणवाय मनशान जोडली ती ताणे तोंड्डी धाकट्या धाकट्या वाक्यांनी दुसऱ्याक दिल्ली ओपार म्हळयार जाणवयेन भरिल्ली सीसली" ही व्याख्या जंयती नायक आपल्या कोंकणी लोंकवेदांतली 'बायलेची प्रतिमा' ह्या प्रबंधान बरयता. (नायक,69)

3. The Oxford dictionary of proverbs ह्या कोशांत म्हणीची व्याख्या अशी बारयल्या

"They are traditional saying which offer advice or present a moral in a short and pithy manner" (Speake,10)

( स्वैर अणकार : पारंपारीक म्हण ही सल्लो दिवपी वा देख दिवपी एक ल्हान आनी अर्थपूर्ण रीत )

4. 'म्हणी सागर' ह्या पुस्तकाच्या प्रस्तावनेंत मनोहर धुंगट पै मांडटात, "सगल्या समाजाचो रासवळीं अणभव व्यक्त जाल्लो आसता तें वाक्य म्हळयार म्हण" देखून म्हणीक लोकमान्यता आसता. तांतूत सर्वकाळ सत्य आसता अशें म्हणूं येता.

(पै.घुंगट,15)

5."म्हण म्हळयार अणभवांची खण" अशें पुंडलीक नायक 'म्हणींच्या आदारान कोंकणी समाजाचो अभ्यास जांवचो' ह्या माथाळ्या खाला कोंकणी म्हणी सागर ह्या पुस्तकांत बरयता. (पै.घुंगट,5)

6. सम्रग शणैं गोंयबाब 'खंड पयलो' ह्या ग्रंथांतल्या 'येवकार अध्यक्षांले उलोवप' ह्या माथाळ्या शणै गोंयबाब बरयता :

संस्कृत 'भण' धातुपासून "म्हण, म्हणणी हे शब्द घडले. जें म्हणील्ले वा जें म्हणटात तें, असो अर्थ. जी गजाल लोकांच्या उलोवपांत परती परती येता आनी ते गिन्यानी वाक्य जाता ती म्हणणी. पयलीं म्हणणीं आनी ताचे अनेकवचन म्हणण्यो हींच उतरां घोळणुकेंत

आशिल्लीं. " कोंकणीत खोल अणभवान भल्लेल्यो म्हणण्यो जायत्यो आसात अशें मनोहर धुंगट पै आपल्या म्हणी सागर पुस्तकांत माणटना दिसता". (वालावलीकार,12)

## 4.2 म्हणींचें संकलन- अर्थावणी आनी देखी

**अ**

1. अडला हरी गाढवाचे पाय धरी – वायट परिस्तिथींत पडटकच कोणाक कोणाचे पांय धरचे पडटात.

**आ**

2. आपणाक खावंक मेवोना म्हुणोन ताका आंबोट म्हणपी – मेळूक नाशिल्ल्या गजालिची निंदा करप.

3. आपूण मेले बगर स्वर्ग दिसना – स्वता अणभव घेतले बगर खंयचेच गजालीचें म्हत्व कळना.

4. आपलो खुरीस आपणेंच खांदार मारून व्हरप – आपल्या कामाचे वजे आपणेच फुडें घेवन वचपाक जाय.

5. आयत्या बिळांत नागोबा – दुसऱ्या कडल्यान आपलो फायदो करून घेवप.

**उ**

6. उमथ्या कळशार उदक – कोणा एकल्याक कितलेंय सांगल्यार ताणें तें लक्षांतूच घेनासप वा सांगिल्लें फुकट वचप.

**ए**

7. एकदां दाढेक धरिल्लें केन्ना सोडप न्हय – खंयचेर काम करतलोच म्हूण थारायता आनी तें काम पुराय जाल्या बगर मरसर काम करीत रावप.

8. एका हातान ताळी वाजना – खंयचेंय काम पुराय करपाक दोन पक्षांची संमती आनी सहकार गरजेचो आसता.

**क**

9. कावळ्याच्या स्रापान गायो मरच्यो नात – नालायक मनशाचीं वायट उतरां कर्तुबी मनशांक लागनात.

10.काश्टी भिजय नासतना थिगूर खावंक सोदता – कश्ट करिनासतना आरामशी आयुश्य जगपाक सोदप.

11. कालचें काम आयज करप,आयचे काम आतां – फाल्या फाल्या करून काम केन्नाच जायना ताका लागून तें काम कळटा तेन्ना करून उडयलें बरें आसता.

12. काम जालें काय वैज मेलो – आपलें काम जातकच त्या मनशाची पर्वा करपना .

13. कामीण जाल्ल्यांक सगळेंच हळडूवें दिसता – वायट मनशांक बरेंय गजाली लेगीत वायटूच दिसतात .

14. कुसके आंबे मुड्यांत आसतकच सगळो मुडोच कुसता – वायट मनशांच्या संगतीक लागून बरें मनीसूय पाड जातात.

15. कोणाकूय सुंगटां दिवचीं पूण पोंय दाखोवची न्हय – खंयचेय गजालीचो स्रोत दाखोवप ना.

**ख**

16.खाल्लेल्या पानार हळशीक करप – जो मनीश आपल्याक आदार करता त्याच मनशांक निमाणे कडेन त्रासान उडोवप.

17.खिणांत सुकती खिणांत भरती – दुख्ख आनी सुख्ख हे मनशाच्या जिवितांत आसताच.

18.खाल्लेल्या पानार हळशीक करप – जो मनीश आपल्याक आदार करता त्याच मनशांक निमाणे कडेन त्रासान उडोवप.

**ग**

19.गूट सांगलो, दुसरो धनी जालो – गुपीत सांगल्यार दुसरो ताचो फायदो घेता.

**घ**

20.घर भरून दार ओतता – खूब गिरेस्त वा समृध्द आसप .

**ज**

21.जशाक तशें – दुसऱ्यांचे वायट करपाक वता तो स्वता त्रासांत पडटा.

22.जिससे साप बी मरे और लाठी भी न टुटे – आपले काम जावं आनी लुकसाणूय ना जावं.

**त**

23.तुगेलो मासो आजून उदेवचो आसा – भाग्य उदेवपाक वेळ आसा.

24.तुपूय गेले आनी तेलूय गेलें – सगळेंच गमोवन वा शेणोवन बसप.

25.तेल काडटल्याचें भेंड दुखता – कश्ट करता ताका त्रास आसताच.

**द**

26.देवान ताट दिलां पूण खातल्याचें तोंड धल्लां – देवाच्या कृपेन घरांत पयसो खूब आसा पूण घरांत मात सूख ना.

**न**

27.नाचोंक येता ताका आंगण वांकडें – आपणाक कळना म्हूण परिस्थितीक दोश दिवप.

**ब**

28.बोब मारली म्हूण सर्गार पावना – कितल्याय व्हडल्यात आड्डलो म्हणून मनीस व्हड पदवेचेर पावना.

29.बोब मारून गिराण सुटना – बोवाळ घालो म्हूण अरिश्टां पयस जायनात.

**भ**

30.भुरग्याचे पांय खंय पाळण्यांत दिसतात – फुडलीं लक्षणां पयलींच कळप .

31.भोंकता तें सुणें चाबना – खूब व्हडले व्हडले उलोवन दाखोवपी लोक केन्नाच कसले बरें काम करपाक पावना.

**म**

32.म्हशीचो वास गिदांक रोकडोच लागता – बरी तशेंच वायट गजाल लोकांक रोकडीच कळटा.

33.म्हशीचीं शिंगा म्हशीक जड जायना – आपल्या मनशांची जबाबदारी जड दिसना / आवयक आपलीं भुरगीं जड लागनात.

34.म्हपशेच्यान गोंय लागीं – सोंपें काम कठीण पद्दतीन करप

**ल**

35.लजेक गेल्यार पेजेक पावना – आयच्या संवसारांत फाटी रावल्यार कांयच मेळना पूण आपल्या हिमतीर ते मेळोवचे आसता.

**व**

36.वाऱ्यांक गेल्यार शीत मुठल्याक येना – हाता भायर गेल्लीं भुरगीं परत हाताक मेळना / हाता भायर गेल्ली परिस्तिथी परतून थाऱ्यार येना.

37.वेंताक चुकता तो वांवाक चुकता – खंयचेय ल्हानशे चुकीक लागून व्हड प्रायश्चीत भोगचें पडटा.

38.व्हडल्या घरचें पोखळ वाशे – भयल्यान  आकांत किसपी पूण भीतल्यान परिस्थितीक बीकट आसप .

**श**

39.शिता फुडें मीठ खावप – गरजे भायर पयलींच फुडारांतल्या घडिचारा विशीं तर्क बांदून अनुमान काडप.

**स**

40.सूम जळळें पूण पीळ वचना – जल्मजात वायट गूण मरसर वचना.

**ह**

41.हाताचीं पांचूय बोटां सारखीं नासतात – सगळेच मनीस एक सारखे आसनात .

42.हांडीर आसा चेडो सोदता सगळो वाडो – कामाच्या बोवाळांत दोळयां मुखार आशिल्ली वस्त दिसप ना.

## पांचवें प्रकरण : वेंचीक उतरां – संकलन, अर्थावणी आनी देखी

1. पोचुंडी – बुरशें

वाक्य – शेलीनान पोंचुडें उलोवप कमी करपाक जाय.

2. कवद – बॅटरीक

वाक्य – लोक रातचें कवदें घेवनकुल्यों धरपाक वतालें.

3. धार्जणें – नशीब

वाक्य – रेमेताचे धार्जणेंच फुटकें आसा.

4. कैलां -चुरो

वाक्य – मातयेचीं आयदना मातशीं आदळ्ळी जाल्यार ताची कैलां जातात.

5. निर्गत – जागृताय

वाक्य - कोरोना ह्या म्हामारिची निर्गत जगभर चलता.

6. साबळो – भोळो

वाक्य – आमचीं व्हडली चली निरुपा सामकीं साबळी.

7. वालेत – खळी

वाक्य – खुबशें फावटी बेबदे सोंरो पिवन मारगाच्या कुशिच्या वालेतीन पडटात.

8. समेट – समजीकाय

वाक्य – महाराजान आनी आचार्यांनी सांगिल्लें आयक आनी पांडवां कडेन समेट कर.

9. धजलो- व्हडलें व्हडलें उलोवन

वाक्य – रेमाक अक्कल ना तरी तें म्हाका धाजले उलोवन दाखयता.

10. खिन्न -खंती

वाक्य – ताचो दुखी संवसार पळोवन तें खिन्न जाले.

11. तडड्का – फटींग

वाक्य – सुमीतान तडड्कां उलोवपाचे सोडलें

12. इलामत -जमो / दल

वाक्य – रामा फाटोफाट सगळी इलामत गेली.

13. इंसुल्तार – अपमान

वाक्य – आवयन सगळयां मुखार रेमाचो इंसुल्तार केलो.

14. कंद – मस्ती

वाक्य – खेमू देवळांत भितर वचून कंद करू नाका.

# सवें प्रकरण : समारोप आनी निश्कर्श

## समारोप :

प्रस्तूत अभ्यासाच्या माध्यमांतल्यान कोंकणी नाटकांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी करपाचो प्रयत्न जाला.

प्रस्तूत प्रबंध स प्रकरणांनी विभाजीत केला. ह्या वेगवेगळ्या प्रकरणांच्या माध्यमांतल्यान अभ्यासाचीं उद्दिश्टां पुराय केल्यात.

**पयल्या प्रकरणांत,** पुराय सोद वावराची एकंदरीत मांडावळ दिल्या. हातूंत म्हणी आनी वाक्प्रचाराची सुरवात केन्ना सावन जाली हाचे विशीं प्रस्तावनेंत मांडला, संशोधनाची समस्या, अभ्यासाचीं उद्दिश्टां, अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा, साहित्य नियाळ, सोद वावराची, प्रबंधिकेची उपयुक्तताय , पद्दत आनी प्रकरणांची मांडावळ नमूद केल्या.

**दुसऱ्या प्रकरणांत,** 'नाटक- व्याख्या, घटक आनी इतिहास' ह्या माथाळ्या खाला नाटकाच्यो व्याख्या, घटक मांडल्यात. तशेंच नाटकाचो इतिहास आनी कोंकणी नाटकाचो इतिहास स्पश्ट केला.

**तिसऱ्या प्रकरणांत,** ‘वाक्प्रचार- व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी’ ह्या माथाळ्या खाला वाक्प्रचाराच्यो व्याख्या मांडल्यात. तेंच बरोबर नाटकांतले वाक्प्रचार सोदून तांचें संकलन केलां आनी तांची अर्थावणी करून देखी दिल्यात.

**चवथ्या प्रकरणांत,** ‘म्हणी – व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी’ ह्या माथाळ्या खाला म्हणीच्यो व्याख्या मांडल्यात. कोंकणी नाटकांतल्या म्हणींचें संकलन केला आनी ताची अर्थावणी करून देखी दिल्यात.

**पांचव्या प्रकरणांत,** ‘वेंचीक उतरां – संकलन, अर्थावणी आनी देखी’ ह्या माथाळ्या खाला कोंकणी नाटकांनी जीं नवीं उतरां मेळटात तांचें संकलन केलां तशेंच तांचो अर्थ सोदून काडलो आनी देखी दिवन स्पश्ट केला.

**सव्या प्रकरणांत,** समारोप करून अभ्यासाचे निश्कर्श मांडल्यात.

**निश्कर्श :**

आयच्या ह्या नव्या आनी बदलत्या युगात नवे नवे सोद जायत आसात. जशी जशी उदरगत जायत आसा तशी पाश्चात्य संस्कृती आपले पाय हांगाचे मातयेन रोवपाचे प्रयत्न करीत आसा. ताका लागून संदच्या जिवनांत वाक्प्रचार, म्हणी आनी थोडी पोरणी उतरां

वापरपाची बंद जाल्यात. ह्याच कारणाक लागून कोंकणी नाटकांत म्हणी आनी वाक्प्रचार आशिल्ल्या तांकीची जाण जावची हो हेत मनांत बाळगून तशी जाण करून दिवपाचो यत्न ह्या प्रबंधिकेंत केला.


प्रस्तूत अभ्यासाच्या माध्यमांतल्यान कोंकणी नाटकांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी करपाक प्रयत्न जाला.

प्रस्तूत प्रबंध 6 प्रकरणांनी विभाजीत केला. ह्या वेगवेगळ्या प्रकरणांच्या माध्यमांतल्यान अभ्यासाचीं उद्दिश्टां पुराय केल्यात.

'वाक्प्रचार- व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी' ह्या माथाळ्या खाला वाक्प्रचाराच्यो व्याख्या मांडल्यात. तेंच बरोबर नाटकांतले वाक्प्रचार सोदून तांचें संकलन केलां आनी तांची अर्थावणी करून देखी दिल्यात.

1. 13 नाटककार घेतल्यात आनी तांची 25 नाटकां अभ्यासाक घेतल्यात. 25 नाटकांनी एकूण 177 वाक्प्रचार मेळटात आनी दर एका नाटककारांनी आपल्या नाटकांनी कितल्या प्रमाणांत वाक्प्रचार वापरल्यात ते ह्या तकटयांत मांडला.

## तकटो 6 . 1 : नाटकांनी आयिल्ले वाक्प्रचार




2. चडशे वाक्प्रचार जे नाटकांनी सांपडटात ते आंगांच्या अवयवाचेर आधारून आशिल्ले पळोवंक मेळटात.


देखीक : 1. कपलार आठ्यो पडप.

2. दोळ्यांत तेल घालून राखण करप.

3. पडिल्लो दांत कसो उलोवप.

4. पोटाक उजो लागप.

**तकटो 6 . 2 : आंगांच्या अवयवाचेर आदारून आशिल्लें वाक्प्रचार**




3. कांय नाटककारांनी आपल्या बोली भाशेंत कशें तरेन वाक्प्रचार वापरतात ते ताच्यांनी नाटकांनी तश्याक तशे वापरिल्ले पळोवंक मेळटात.

देखीक : 1. हागता हागता धांवलो.

2. खाल्ल्या पानार हागप.

4. सदच्या जिवनांत वापरपी वाक्प्रचार वा हेरा कडल्यान आयकपाक मेळटात त्या वाक्प्रचारांचो नाटकांनी खूब प्रमाणांत वापर जाल्लो पळोवंक मेळटा.

देखीक : 1. तोंड वाकडें करप.


2. पांखां फुटप.

3. कच्च करून आंग काडप.

4. म्हारगाय मळबाक तेंकप.

5. नाटककांरानी आपल्या नाटकांनी एका परस चड जे वाक्प्रचार वापरिल्ले आसा त्या वाक्प्रचारांचो तकटो तयार केला.

**तकटो 6 . 3 : नाटकांनी चड प्रमाणांत वापरिल्लें वाक्प्रचार**




6. जनावर एक प्रतीक कशें वापरून मनशांक उल्लेखून जे तयार केल्ले वाक्प्रचार आसात ते कांय नाटककारांनी आपल्यां नाटकांनी वापरिल्ले पळोवंक मेळटात.

देखीक : 1. कावळ्याची नदर आसप.

2. भोंकता तें सुणें चाबना.

7. हिंदी, मराठी, इंग्लीश ह्या भाशेंतले जे मूळ वाक्प्रचार आसात तेच घेवन तांचो कोंकणी भाशेंत मांडिल्ले पळोवपाक मेळटात.


   देखीक : 1. इज्जतीचो फालुडा करप (मूळ हिंदी)

8. दशका प्रमाण नाटकांतल्या वाक्प्रचारांची वाड जाल्ली पळोवंक मेळटा.

'म्हणी – व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी' ह्या माथाळ्या खाला म्हणीच्यो व्याख्या मांडल्यात. कोंकणी नाटकांतल्या म्हणींचें संकलन केला आनी ताची अर्थावणी करून देखी दिल्यात.

1. 13 नाटककार आनी तांची 25 नाटकां अभ्यासाक घेतल्यात. 25 नाटकांनी एकूण 44 म्हणी मेळटात आनी दर एका नाटककारांनी आपल्या नाटकांनी कितल्या प्रमाणांत म्हणी वापरल्यात ते ह्या तकटयांत मांडला.

## तकटो 6 .4 : नाटकांनी आयिल्ले म्हणी



2. समाजांत जागताना आमकां जायत्या वृत्तीप्रवृतीच्या लोकांचो सामनो करचो पडटा. ह्या वृती प्रवृतीक फावो ती म्हण आमच्या जाण्टेल्यांनी रचिल्यो नाटककारांनी आपल्या नाटकांनी तांचो योग्य थंय वापर केल्लो पळोवंक मेळटा.

देखीक : 1. वाऱ्याक गेल्यार शीत मुठल्याक येना.

2. उमथ्या कळशार उदक.

3. हाताचीं पांचूय बोटां सारखीं नासतात.

3. म्हणी ह्यो गांवगिऱ्या लोकांची मौखीक संपती आशिल्यान कांय नाटककारांनी नाटकांनी पोजड्या उपमेचो वापर केल्लो दिसता पूण काळा प्रमाण त्यो फाटी पडत गेल्यात.

देखीक : 1. खाल्लेल्या पानार हळशीक करप.

4. संदच्या जिणेंत ज्यो म्हणी वापरतात त्यो म्हणी नाटकांत आयल्यांत ताच्या बरोबर पोरण्योय म्हणी सांपडल्यात. ताका लागून नाटकांतल्या म्हणींतल्यान आमकां

इतिहासाची कल्पना येता. तशेंच वाक्प्रचार कितलें पयलींचे आसात तांची जाणूय जाता.

देखीक : 1. भुरग्याचे पांय खंय पाळण्यांत दिसतात.

2. आपलो खुरीस आपणेंच खांदार मारून व्हरपाक जाय.

5. हिंदी, मराठी, इंग्लीश ह्या भाशेंतल्यो ज्यो मूळ म्हणी आसात त्योच म्हणी घेवन कांय नाटककांरानी त्यो कोंकणी भाशेच्यो करून मांडिल्ले पळोवपाक मेळटात.

देखीक : 1. अडला हरी , गाढवाचे पांय धरी ( मराठी )

2. Tit for tat ( इंग्लीश

3. जिससे साप बी मरे और लाठी भी न टुटे ( हिंदी)

2. 'वेंचीक उतरां – संकलन, अर्थावणी आनी देखी' ह्या माथाळ्या खाला कोंकणी नाटकांनी जीं नवीं उतरां मेळटात तांचें संकलन केलां तशेंच तांचो अर्थ सोदून काडलो आनी देखी दिवन स्पश्ट केला.

1970 – 2000 ह्या काळातल्या नाटककारांनी जी नाटकां बरयल्यात तातूंत खुबशीं नवीं उतरां वापरिल्लीं पळोवंक मेळतात. तशेंच 2001-2022 ह्या काळांतल्या नाटककारांनी खूब कमी प्रमाणांत नव्या उतरांचो वापर केल्लो दिसता.

नाटकांतल्या नव्या उतरांचो अभ्यास करतना सगळींच उतरां जीं म्हाका नवीं दिसल्यात तीं अभ्यासपाक घेंतली ना पूण जीं उतरां कोशांत वा शब्दकोशांनी मेळनात तींच उतरां घेवन तांचों अर्थ सांगून देखी दिल्यात.

देखीक : साबळो, अवघ्यांकूच, कैलां, धार्जणेंच.

सव्या प्रकरणांत, समारोप करून अभ्यासाचे निश्कर्श मांडल्यात.

कोंकणी नाटकांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी ह्या विश्या खाला अभ्यास करतना हांवें 14 नाटककारांची 25 नाटकांचेर अभ्यास केला. (काळ – 1970-2030). ह्या नाटकांचो जेन्ना अभ्यास जालो तेन्ना खूब गजाली कळयो. कांय नाटककार आपल्या नाटकांनी खूब प्रमाणात वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवीं उतरां वापरता तर कांय नाटककार खूब कमी प्रमाणांत आपल्या नाटकांनी वाक्प्रचार आनी म्हणी वापरतात. हें अभ्यास केल्या नाटकांनी पळोवपाक मेळळे.

नाटकांनी वाक्प्रचार आनी म्हणींचों खूब वापर करप जाला हांचे फाटलें एक कारण म्हळयार नाटककार सातत्यान नाटकां बरयत आयल्यात तांच्या नाटकांनी वाक्प्रचार आनी म्हणी खूब सांपडटात. तशेंच नव्या नाटककारांच्या नाटकांनी ते तितल्या प्रमाणांत पळोवंक मेळनात.

नाटककार जर गांवगिऱ्या वाठारांतलो आसलो जाल्यार ताच्या संदच्या जिणेंत म्हणींचों आनी वाक्प्रचारांचो उपयोग चड जाल्या कारणान तांच्या नाटकांनी तो प्रभाव पडिल्लो पळोवंक मेळटा. तशेंच शहरी जीवन जगिल्ल्यान नव्या नाटककारांच्या नाटकांनी वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवीं उतरां खूब कमी मेळटात वा मेळच ना.

नाटककारांच्या वया प्रमाण जरी तांची नाटकां पळयली जाल्यार जाण्टेलें जें नाटककार आसात तांच्यां नाटकांनी वाक्प्रचार, म्हणी आनी पोरण्यां उतरांचे चड वापर जाल्लो दिसता. तरणाटे जे नाटककार आसात तांच्यां नाटकांनी चड प्रमाणात वाक्प्रचार, म्हणींचो तशेंच नव्या उतरांचो वापर मेळना.

गांवगिऱ्या वाठारांत रावपी वा सात्त्यान बरोवपी जें नाटककार आसात ताच्या नाटकांनी उपाट वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवीं उतरां सांपडटात. देखीक घेत जाल्यार पुंडलीक नायक आनी महेश नायक हे नाटककार तशेंच राजय पवार, बाबा प्रसाद, प्रकाश वजरीकार, भरत नायक हांच्या नाटकांनी तितल्या प्रमाणांत वाक्प्रचार आनी म्हणी सांपडनात.

# संदर्भ

1. कानोळकार, बाळकृष्णाजी . *क्ष समिक्षेंतलो*.परा-प्रतिमा प्रकाशन तुयें, पेडणें- गोंय. 2008.
2. Cardozo, Apolinario. *SÕD TSKK RESEARCH BULLETIN*: 19.THOMAS STEPHENS KONKNNI KENDR B.B Borkar Road, Alto Porvorim-Goa.
3. कांबळे, निवृत्ती. *मराठी एकांकिकेचा रूपबंध आणि आशय :एक चिकित्सात्मक अभ्यास*. गोंय विद्यापीठ, तांळगाव – गोंय, 2017 ( प्रबंध)
4. खेडेकार, विनायक. *उतरां:एक संस्कृतीक दायज*. भूमि प्रकाशक, सावर्शें सत्तरी गोंय, 2021.
5. गांवकार, भालचंद्र. *साहित्य एक भासाभास*. मित्र प्रकाशन किटोलें, बेतोडें, फोंडें- गोंय, 1998.पान 37.

6. गुप्ता, ओमप्रकाश. *मुहावरा मीमांसा*, बिहार राष्ट्रभाषा परिषद् पटना,1960, पान 07.

7. गोश, मनमोहन. *नाट्यशास्त्र*. चौखम्ब सुरभारती, वारानासी, 2016. पान 1-20 .

8. घाणेकार, दामोदर. *कोंकणी सचित्र अश्टांगी अभ्यासकोश*. राजहंस वितरण 1- मीनाक्षी बिल्डिंग डॉ. व्हुल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग पणजी – गोंय, 2009.

9. जोशीं, शंकर. *मराठी भाषेचे वाक्प्रचार, म्हणी आणि इत्यादि*, चित्रशाळा, पुणें – म्हाराष्ट्रा,1910, पान 8-18.

10. चोपडेकार , हनुमंत. *मोलावणी*. भूमि प्रकाशन, सावर्शे, सत्तरी – गोंय, 2021

11. चोपडेकार, हनुमंत. *समिक्षा एका साहित्य-साधकाची*. आलिना प्रकाशन दोंगरी, तिसवाडी – गोंय, 2009.

12. च्यारी, पुर्णानंद. *पुंडलीक नायक आनी विजय तेंडुलकर हांच्या वेंचीक नाटकांचो तुलनात्मक अभ्यास*. गोवा विश्वविद्यालय ताळगांव-गोंय, 2013.पान 35-42

13. चोपडेकार, हनुमंत. *दम दमा दम*. सारा क्रियेशन फोंडें-गोंय, 2011.

14.चोपडेकार, हनुमंत. *कैदी नंबर ००१*. अभिजीत झिलू गांवकार,भूमी प्रकाशन, सावर्शे सत्तरी-गोंय, 2008.

15.Thali, Mukesh. *Konkani English illustrated dictionary.* rajhauns sankalpna pvt Ltd, Panjim-Goa,2020.

16.Thali, Mukesh. *English Konkani illustrated dictionary*. rajhauns sankalpna pvt Ltd, Panjim-Goa,2019.

17.दलिमा, एडवर्ड. *कोंकणी ओपारींचो कोश*, विक्रम प्रकाशन, म्हापशें – गोंय, 2017.

18.दादेगांवकर, उमा., तडकोडकर, प्रियादर्शिनी. *साहित्य नवनीत*.स्नेह प्रकाशक ताळगांव गोंय, 1997. पान- 22- 30 .

19.देसाय, रघुनाथ .*कोंकणी शब्दकोश*.सौ. सरस्वती श्री. देसाय सौन्दर्यलहरी, ३० गणंजय सोसायटी, कोथरूड- पुणे,1990.

20.देशपांडे, राव, कमलादेवी. *म्हणी फाटली काणी*,हरिश्चंद नागवेंकार सचीव अस्मिताय प्रतिष्ठान, मडगांव गोंय, खंड पयलो (क सावन न मेरेन ), 1998.

21.देशपांडे, राव, कमलादेवी. *म्हणी फाटली काणी*, हरिश्चंद नागवेंकार सचीव अस्मिताय प्रतिष्ठान, मडगांव गोंय, खंड दुसरो (प सावन ह मेरेन), 1998.

22.नायक, जंयती. *कोंकणी लोकवेदांतली बायलेची प्रतिमा:एक सामाजिक – सांस्कृतिक अभ्यास*, गोंय विद्यापीठ ताळगांव गोंय, 2013. (प्रबंध)

23.नायक,पुंडलीक.*रंगपाठ*.अपूरबाय प्रकाशन,फोंडें-गोंय,1992.

24.नायक, अनुरा. *वेंचीक कोंकणीतले म्हणीतल्यान समाज दर्शन*, प्रबंधिका, ताळगांव गोंय, 2016.

25.नायक, पुंडलीक. *कोंकणी नाटधस्पर्धेचीं पंचवीस वर्सा*. कला अकादमी पणजी – गोंय, 2001.

26.नायक, पुंडलीक. *श्री विचित्राची जात्रा*. अपुरबाय प्रकाशन, वळवय फोंडें-गोंय, 1986.

27.नायक, पुंडलीक. *दायज*. अपुरबाय प्रकाशन, फोंडें वळवय-गोंय, 1990.

28.नायक, पुंडलीक. *कांसुलो*. अपुरबाय प्रकाशन, वळवय फोंडें-गोंय, 2002.

29.नायक, पुंडलीक. *चैतन्याक मठ ना*. अपुरबाय प्रकाशन, वळवय फोंडें-गोंय, 1991.

30.नायक, पुंडलीक. दे*मान्द*. अपुरबाय प्रकाशन, वळवय फोंडें-गोंय, 1980.

31.नाईक, महेश. *ऑल इज वेल.* अक्षब्रम्ह प्रकाशन द्वारा महेश चंद्रकांत नाईक सांतिनेज पणजी-गोंय, 2010

32.नायक, जंयती. *कुकमादेवीची दिपमाळ*. राजाई प्रकाशन, आमोणें केपें-गोंय, 2009.

33.नायक, महेश. *आठ दोळे बारा हात*. अक्षरब्रहा प्रकाशक, सांतिनेज पणजी-गोंय. 2018.

34.नायक, पुंडलीक .*प्रेमयुद्ध*. अपुरबाय प्रकाशन, वळवय फोंडें-गोंय. 2000.

35.नायक, पुंडलीक. *फिरंगी* फटास. अपुरबाय प्रकाशन, वळवय फोंडें-गोंय.2011.

36.नायक, पुंडलीक. *खणखण माती*. अपुरबाय प्रकाशन, वळवय फोंडें-गोंय, 1977.

37.नायक, भिकू. *जैत अंक -1* . सुरेश सगुण नायक जैत प्रकाशन एम. 231, खोर्ली, तिसवाडी – गोंय, 2014

38.Definition of Idioms:Www.Wisdomlibrary.org

39.https://www.wisdomlib.org/hinduism/book/the-natyashastra/d/doc202316.html

40.पवार, राजय. *आमचो हात जगन्नाथ*. सानिका प्रॉडक्शन, 2007.

41.पवार, राजय. *नाटक एका नाटकाचे*. सानिका प्रॉडक्शन ॐकार नवदुर्गा गार्डन, कळमा मळ बोरी फोंडें-गोंय. 2010

42.पै धुंगट, मनोहर. *कोंकणी म्हणीसागर*, गोवा कोंकणी अकादेमी, फोंडे – गोंय, डिसेंबर 2003 .

43.प्रसाद, बाबा. चूड *दाखोवन म्हारू घरांत*. बाबा प्रसाद पब्लिकेशन परकेभार, करमळी-गोंय, 2020.

44.प्रसाद, बाबा. *तेलूय गेलें आनी तुपूय गेले*. बाबा प्रसाद पब्लिकेशन परकेभार, करमळी-गोंय, 2022.

45.बांबोळकार, कामत श्रीधर. "*नाटकः उगम आनी विकास*" पणजी-गोंय ; सुनापरांत, 13 ऑगस्ट 2000 .

46.बांबोळकार, दत्ताराम. *सत्य माड्डीतां माड्डीतां*. प्रा हरिश्चंद्र नागवेंकार सचीव, अस्मिताय प्रतिष्ठान १०,कॉमसे हाउस लुइश मिरांडा मार्ग, मडगांव-गोंय, 1998.

47.Budkuley, kiran.*SHENOI GOEMBAB THE MAN AND HIS WORK*. Dr. Harishchandra T. Nagvenkar Secretary Asmitai Pratishthan 10, Commerce House Luis Miranda Road Margao, 2003.

48.बोरकार,दिलीप.*वर्गशत्रू*.आकशी आगस्ती प्रकाशन,1982.

49.बोरकर, सखाराम शेणवी. *कोंकणी म्हणी आनी वाक्यप्रचारांतलें सुणें आनी माजर*, भांगरभूंय,23 जुल्य 2023,पान 4.

50.बोरकार, सम्राट. *माल अपना फुलय सपना*. कलाचेतना राजदिप नायक,2009.

51.बोरकार, सखाराम शेणवी. *कोंकणी लोक संस्कृतांतलो कोलो*, बिम्ब मासीक, अंक 3, मार्च 2020,पान 18- 21 .

52.बोरकार, सम्राट. *माल अपना फुलय सपना*. कलाचेतना राजदिप नायक, 2009.

53.बोरकार, दिलीप. *आणटीची गादी*. आगस्ती प्रकाशन, 1989.

54.भांगी ,पांडुरंग. *कोंकणी शब्दसागर खंड – 1 (अ)*. गोवा कोंकणी अकादेमी सर्किट हाऊस, आल्तीनो पणजी-गोंय. मार्च 1992.

55.भांगी, पांडुरंग. *कोंकणी शब्दसागर खंड – 2 (आ)*. गोवा कोंकणी अकादेमी सर्किट हाऊस, आल्तीनो पणजी-गोंय. मार्च 2003.

56.भेंब्रे, उदय. *कर्णपर्व*. संजना पब्लिकेशन्स ३९, दत्तावाडी सांगे-गोंय. 2013.

57.महाले, काशिनाथ. *कोंकणी उतरावळ*. वि. म. घुमे.सचिव, गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी – गोंय. 1995.

58.Richard Harter Fogle. *Coleridge on Dramatic Illusion Vol 4*.Cambridge University Press, 1960. Pg: 33-44.

59.वजरीकार, प्रकाश. *भूंय म्हजी भांगराची*. भुमि प्रकाशन,सावर्शे सत्तरी -गोंय. 2021.

60.वजरीकार, प्रकाश. द *रायट टू वोट*. प्राची प्रकाशन वजरी, साखळी-गोंय. 2015.

61.वजरीकर ,प्रकाश. *वज्रघात*. प्राची प्रकाशन, वजरी साखळी – गोंय, 2010.

62.वजरीकार, प्रकाश. *आनी एक बुटो फुल्लो*. प्राची प्रकाशन वजरी, साखळी-गोंय. 2004.

63.वालावलीकार, शांताराम. *सम्रग शणैं गोंयबाब खंड 1.* गोवा कोंकणी अकादमी फोंडें– गोंय, 2003.पान 12.

64.वाज, डॅनीस. *साश्टी क्रिस्तांवांची बोली : सुदीर गावडा मोडयांच्या संदर्भांत*. गोंय विद्यापीठ तांळगाव – गोंय, 2018.

65.वेरेंकार, श्याम. *कोंकणी भासा साहित्या आनी संस्कृताय*. कोंकणी भाशी मंडळ, मडगांव गोंय, 2003.पान – 317 – 326 .

66.शिंदे, माधवराव. *नाटक शास्त्र आणि तंत्र*, प्रकाशक, कि, मा. शिंदे ,1967.

67.सरदेसाई, माया. *भारतीय रंगभूमीची परंपरा*. श्री. एल. व्ही तावरे स्नेहवर्धन, ८६३ सदाशिव पेठ, म. फुले सभागृहामागे – पुणे, 1996.

68.Shenoy, Basti. *KONKANI SHABDA SANGKAHA* . Basti Maman Shenoy, Blast Prakashana, Thumbay-574170. Blaitwal (D.K. Dist.) Kanataka,2002.

69.Speake, Jennifer. *The Oxford dictionary of proverbs*. oxford New York University press, 2008. Pg 10.

70.सिरसट, सविता. *मराठी म्हणी,वाक्प्रचार आणि उखाणे यातून घडणारे लोकजीवनदर्शन*. डॉ बाबासाहेब आंबेडकार मराठवाडा विद्यापीठ औरगाबाद, 2014, पान 81.

71.सुखटणकर, शांता. *कोंकणी म्हण्यो*, अशोक प्रिंटींग प्रेस 201, खेतवाडी मेकरोड – मुंबई, 1994.

72.Sydney, Albert. *Oxford advanced learner's dictionary*. Oxford University Press, 2009 . Glucksberg, S . Understanding figurative language: from metaphor to idioms, Oxford University press,2001.